चैतन्याक मरण ना

पुंडलीक नायक



चैतन्याक मठ ना

अपुरबाय प्रकाशन

पुंडलीक ना. नायक

नाट्यसाहित्य

नाटकां

✳ खण खण माती ✳ रक्तखेव ✳ राखण ✳ सुरींग ✳ सूर्यसांवट
✳ देमान्द ✳ मुक्तताय ✳ शबै शबै भौजनसमाज ✳ पिंपळ पेटला
✳ श्री विचित्राची जात्रा ✳ चैतन्याक मठ ना ✳ आत्मवंचना

एकांकी/एकांकी संग्रह

✳ गांवधनी गांवकार ✳ चौरंग ✳ आकाशमंच ✳ दिगंत
✳ वेंचीक कोंकणी एकांकी (संपादित)

बालनाट्य

✳ रानसुंदरी ✳ आळशांक वाग खातलो ✳ शिवाचो बळी

चैतन्याक मठ ना

नाटक

पुंडलीक नारायण नायक

अपुरबाय
प्रकाशन

CHAITANYAK MATTH NA
Drama
by - PUNDALIK NARAYAN NAIK

प्रकाशन क्र. ५०

पयली उजवाडावणी :
१९९२

उजवाडावपी :
हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय, फोंडं
गोंय : ४०३४०१

छापपी :
हिरू नारायण नायक
अपुरबाय प्रिंटर्स
वळवय, फोंडें
गोंय : ४०३४०१

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल :
३०/- रुपया

अंधश्रद्धा निर्मूलन चळवळीचे

प्रा. श्याम मानव

हांका

श्रद्धापूर्वक

'चैतन्याक मठ ना' नाटकाचो पयलो प्रयोग श्री नागेश महालक्ष्मी प्रासादिक नाट्यसमाज, बांदोडें, गोंय, हे संस्थेन १५ व्या कोंकणी नाट्यमहोत्सवांत ता. १८ मार्च १९९१ दिसा, सां. ७-०० वरांचेर, पणजे, गोवा कला अकादमीच्या श्री दिनानाथ मंगेशकर नाट्यघरांत सादर केलो.

पयल्या प्रयोगाच्या यशाचे धनी

दिग्दर्शक : श्रीधर अ. कामत बांबोळकार

नेपथ्य : प्रविण बांदोडकार

उजवाड : अशोक सु. नायक

वाद्यवृंद : सुदीन नायक / दामू कुर्पासकार
प्रविण बांदोडकार / दिलीप नायक

संगीत / गायन : पूर्णानंद च्यारी

रंगोवपी : दास कवळेंकार

भेस : संतोष केरकार

सूत्रधार : सुरेश केरकार

नाटकांतले कलाकार

अंकुश : अजीत केरकार
आबू : रामदास बा. नायक
भुरगो : केदार म. जोशी
बायल : चंद्रलेखा नायक
काणयेंकार : दिलीप मा. ढवळीकार
स्वाम्याचे शिश्य : पूर्णानंद च्यारी
: सुरेश केरकार
: रोहिदास कुर्पासकार

गांवातले बाकिचे :

अरूण काळे
म्हेश बांबोळकार
रोहिदास नायक
व्यंकटेश गावणेकार
शंभुनाथ केरकार
दामोदर नायक
गणपत नायक
दामू कुर्पासकार
संजय नायक
किशोर नायक

गांवांतलीं बायल मनशां :

सौ. वत्सल बा. नायक
सौ. सुमती भि. नायक
सौ. कमल पुं. नायक
सौ. कल्याण शा. नायक
सौ. शरयू मे. नायक
सौ. सुशील रा. नायक
सौ. जानकी ग. नायक
सौ. किशोरी को. नायक

(आळशी लोकांचो एक गांव. गांवच्या एका तिठ्यार लोकांचे वेवहार चल्ल्यात. कोण विडयो फुसकायतात, कोण गडगड्यांनीं वा हेर बसक्या खेळांनी खेळटात जाल्यार कोण चकाटां मारतात.)

(कांय जाण बसल्यात थंय एकलो मनीस येता आनी तातूंतल्या मानाय दिसपी एकल्याक हडकिता.)

मनीस : आरे, म्हजें मात्शें वजें उखलशी ?

मानाय : वजें ? उखलूंया. कोणाच्या माथ्यार ?

मनीस : तुज्या.

मानाय : म्हज्या ?

मनीस : तूं मानाय न्हय तर ?

मानाय : तसो हांव मानाय पूण वजें व्हरपी न्हय. मागीर मान कणटा.

मनीस : मानाय कोण मेळटलो ?

मानाय : हांगासर कोण मेळचोना.

(बाकिचेय 'ना' म्हण मानो हालोवन सांगतात.)
दुसरेकडेन कोणूय मेळटा जाल्यार पळय.
(तो मनीस थंयसावन वता.)

(अशेच आनीक कांय जाण बसल्यात. थंय शेतकार सोबुये असो एक मनीस येता आनी तांकां हडकिता.)

शेतकार : आरे, तुमी वावराक येतात ?

एकलो : कसलो वावर ?

शेतकार : खण्णी मारपाची आसा भाटांत.

दुसरो : खण्णी ?

तिसरो : शेतांतले खण्णेक जाल्यार येवं येतालें.

चवथो : भाटांतली खण्णी म्हणजे – फातर, गुंडे आसतात. हाताक येतात फोड.

शेतकार : दिसावडो शेतांतले खण्णेचो न्हय. चड आसतलो.

पयलो : दिसावड्याचें बरें आसा पूण कश्ट चड पडटात न्हय.
(सगळे मानेनूच हयकार दितात. शेतकार थंयसावन वता.)

(एकीकडेन एकलो मनीस एकोडोच बसला. थंय दुसरो एकलो येवन ताका हडकिता.)

दुसरो : आरे, शेतांत वावराक येता ?

पयलो : खंय ?

दुसरो : थंय – पलतडीं.

पयलो : आवय्स ! इतले पयस ? खंय लागीं आसल्यार सांग.

दुसरो : तुजेखातीर शेत उखलून हांगां हाडूं ?
(रागान वता.)

(एके सुवातेर एकलो बसून काणी सांगता आनी बाकिचे लोक ती आयकतात.)

काणयेकार : तर राजाच्या राज्यांत सगळे तरेचे लोक आसले. शेतकार आशिल्ले ते शेतां पिकयताले. वेपारी आशिल्ले ते वेपार

करताले. मास्तर आशिल्ले ते भुरग्यांक शिकयताले. वैज आशिल्ले ते पिडेस्तांक बरे करताले. बुदवंत आशिल्ले ते राजाक वायट-बऱ्यो बुद्दी दिताले. राज्यांतलो एकान एक मनीस कितें ना कितेंतरी करतालो. बेकार म्हण रावनासलो. कश्टकऱ्यांचें राज्य असो त्या राज्याचो लौकीक आसलो. एक दीस राजान आपणाल्या राज्याची नियाळणी केली आनी एके सोबीत बायलेक गळ्यांतल्या भांगराचीच नसाय जांवची तशें राजाक जालें. राजान आपणाल्या प्रधानजीक म्हळें, प्रधानजी, कितें ही आमच्या राज्याची दशा? आमच्या राज्यांत सगळे काम करपी लोक. एक लेगीत आळशी मनीस आमच्या राज्यांत ना. सामकी लजेची गजाल! प्रधानजीक राजाची खंत समजली. प्रधानजीन राजाक म्हळे, 'महाराज, अशें कशें शक्य आसा? येदच्या व्हडल्या राज्यांत कोणतरी आळशी मनीस आसतलोच. आमी राज्यभर पेरगांव घालूंया आनी सगळ्या आळशांक एकठांय जमोवंया.' ते प्रमाण राज्यभर पेरगांव घातलें, 'राज्यांत जे कोण आळशी मनीस आसात ताणी अमक्या दिसा, अमक्या वेळार दरबारांत हाजीर जावचें. जे आळशीपणाक लागून दरबारांत येवचे नात तांकां तांगेल्या घरच्यांनी बळजबरीन दरबारांत हाडचें.' तेप्रमाण थरिल्ल्या दिसा, थरिल्ल्या वेळार आळशी लोकांच्यो दरबारांत धिट्टी पडल्यो. चडशे आपूण जावन आयिल्ले. तर कांय जाणांक घरच्यांनी भुजांक धरून, खांदार मारून, फाटकुळेर घालून हाडिल्ले. इतल्या आळशी लोकांक पळोवन राजा धादोस जालो. ताचें हड्डें अभिमानान फुल्लें. पूण रोकडेंच राजाचें मुखामळ बावलें. कपलार आंठ्यो पडल्यो. राजान प्रधानजीक आपलो हुस्को सांगलो, 'प्रधानजी, हे सगळे लोक आळशी म्हणपाचें खरेपण कितें? राजा आपणांक आयतें खावपा-जेवपाक घालतलो म्हणून हाणी आळशाचें सवंग केलां

आसूं येता.' प्रधानजीन राजाक म्हळें, 'तें काम म्हजेर सोंपयात' आनी प्रधानजीन त्या सगळ्या लोकांक एका व्हडल्या घरांत व्हरून दबरले. आळशांक खाण-जेवण फुकट मेळपाक लागलें. अशे बरेच दीस गेले. एक दीस प्रधानजीन रातीकडेन ल्हवूच त्या घराक उजो लायलो. तेबराबर सगळे हुंदीर कशे धडाधड घरांतल्यान पळून भायर गेले. एकलोच मनीस एके खाटीर आड पडून रावलो. तो जागो आशिल्लो. उजो ताचे खाटीक लागला तें ताका खबर आसलें. बाकिचे पळून गेल्यात तेंवूय ताका खबर आसलें. आपूण हुल्पून मरतलों हेंवूय तो जाणा आसलो. तूण उठच्या वाजाक तो तसोच पडून आसलो. प्रधानजीन ताका उखलून भायर व्हेलो आनी राजामुखार व्हरून उबो केलो. आनी राजाक सांगलें, 'महाराज, आमच्या राज्यांत फकत एकूच आळशी मनीस आसा आनी तो हो.' राजा संतोसभरीत जालो आनी त्या आळशाक ताणे आपले कुशीक बसोवन ताचो भोवमान केलो. (अभिमानान्) तो आळशी मनीस खंयच्या गांवचो आसलो तें जाणात तुमी ? तो आमच्या गांवचो आसलो. तो आमगेलो पुर्वज.

एकलो : तो मनीस आमच्या गांवचो आनी आमचों पुर्वज म्हणपाक दाखलो कितें आसा ?

काणयेकार : आनीक कसलो दाखलो जाय ? तुमी - आमी होच ताचो दाखलो.

(सगळे खुश जावन हांसतात. इतल्यान एकलो धांवत येता. ताचें नांव अंकुश. गावांतल्या लोकांपरस अंकुशालो भेस वेगळो. ताचे चलणुकेंत एके तरेची चपळताय आसा.)

अंकुश : स्वामी चैतन्यकुमार महाराज की जय !

(लोक आपापले वेवहार सोडून ताचे भोंवतणी एकठांय जातात.)

अंकुश : स्वामी चैतन्यकुमार ह्या गावांत येवपाचो आसा. ताणे तशी घोशणा केल्या.

लोक : स्वामी चैतन्यकुमार ?

अंकुश : स्वामी चैतन्यकुमाराक सगळो संवसार वळखता.

(लोक गोंदळयात.)

अंकुश : स्वामी चैतन्यकुमाराक वळखना अशी मूय आनी मूस लेगीत ह्या संवसारांत ना.

(लोकांतलो दर एकलो आपापल्या मनांमदें येवजिता)

अंकुश : स्वामी चैतन्यकुमार !

लोक : हय, हय आमी ताका वळखतात.

: आमी ताचें नांव आयकलां.

अंकुश : स्वामी चैतन्यकुमार ह्या तुमच्या गावांत येता.

लोक : स्वामी आमच्या गावांत येता ?

(लोक खोशी जाल्यात. तीच खबर ते एकामेकांक सांगतात. थंयच चिरंगट करतात. ते चिरंगटीन ने अंकुशाक नकळटाना कडेक सारतात. अंकुश कुशीक रावन तांचेर एक नदर मारता आनी थंयसावन चलूंक लागता. बोवाळ ल्हवू ल्हवू उणो जाता आनी मागीर एक एकलो उलोवपाक लागता.)

एकलो : स्वाम्याविशीं हांवें खूब आयकलां. तो खंय असो मुठींतल्यान बिभूत काडटा.

लोक : (कांय न्हय करून) बिभूत !

एकलो : पयलीं बिभूत. मागीर भांगराची मुदी, भांगराची सरपळी ...

(लोक अजापभरीत जातात.)

दुसरो : हांवेंय अशेंय आयकलां. पूण हो स्वामी त्याच हातांतल्यान गंवाचो वा तांदळाचो साक काडपाक शकना खंय !

एकलो : हात् कपन्खायऱ्यांनो, आरे तांदूळ आनी गंव काडपाक तो स्वामी तुमच्या आमच्या सारक्या दर्याडिऱ्यांचो न्हय. गिरेस्तांलो स्वामीं तो. गिरेस्तांक जाय तसल्योच वस्तू

तो निर्माण करता.

तिसरो : हावें आयकलां – तागेल्या त्या सदळ झग्यांतल्यान ह्यो वस्तू हातार देंवतात. (दुसऱ्याक) तुजो तांदळाचो आनी गंवाचो साक कसो देंवतलो ?

चवथो : पूण झग्यांत ह्यो वस्तू पावतात कश्यो ?

तिसरो : चमत्कार !

पांचवो : कसल्याय पिडांचेर स्वामी वखद दिता म्हणटा ती गजाल मात सामको खरी.

पयलो : वखद म्हणजे पिल्लां, इंजेसावां तसलें न्हय. फकत गोबोर आनी उदक. म्हणचे बिभूत आनी तीर्थ. कसलीय पीडा आसूं हें इतलें घेतकच आडवो मनीस उबो !

तिसरो : म्हणजे वैजांची आनी इस्पितळांची गरजूच ना.

पयलो : स्वामी आसल्यार नाच. हरशीं म्हण म्हत्वाचीं ऑपरेशनां बी करपाच्या वेळार हे दोतोर, स्वाम्याचीच बुद्द घेतात.

सवो : स्वाम्याची एक गजाल हावें म्हज्या कानांनी आयकल्या. एक फावट स्वामी आपणाल्या शिश्यांसयत प्रवासाक वतालो. जाल्यार वाटेर रथांतलें तेल सोंपलें. स्वामीन रथ थारायलो. रथांतलो रितो दोबो घेतलो. थंयचे बांयच्या उदकान भल्लो, उदक रथाचे टाकयेंत घातलें आनी रथ चालू केलो. प्रवास सुरू.

पांचवो : तुजो गजाल सामको खरी. पूण स्वामी प्रवास करतालो तो रथ न्हय. ती गाडी. रथ परमेश्वराचो आसता. आनी रथाक तेल लागना, घोडे लागतात.

सवो : तें कितेंय आसूं पूण स्वाम्यान उदकाचें तेल केलें ही गजाल खरी.

सातवो : आतां हांव सांगतां ती गजाल खासा दोळयांनी पळयिल्ली. पूण हावें न्हय. गजाल अशी - स्वाम्याकडेन गेल्लीं बायलां रिते होंटयेन परत येनात. तांकां इत्सा नासल्यार लेगीत स्वाम्याच्या आशिर्वादान तांकां भुरगीं जाताच. चड करून बायलां, चले जावंचे म्हण स्वाम्याकडेन वतात

आनी अचूक चलेच जातात. एक दीस खंय विपरीत घडलें. एके बायलेन स्वाम्याकडेन चलो मागलो. बायल मुट्टकच पळय जाल्यार चली. कवळ्या भुरग्याक व्हरून स्वाम्याच्या पांयार घातलें. स्वाम्यान खंय दोळे धांपले. हवेंत हेवटेन तेवटेन हात भोंवडायले. विडयेचें पोंत कशें किते मंत्रून आवयच्या हातांत दिलें आनी सांगलें, दसय. आनी कसल्या कास्ताचें अजाप ! चलयेचो चलो जालो. दोळयांनी पळयिल्ली खबर. पूण हावें न्हय.

लोक : जांव चली, जांव चलो. भुरगीं हो आमचो प्रश्न न्हय. तो प्रश्न गिरेस्तांचो. भुरग्यांक पातीशेर ते. आमी न्हय.

: पूण एक सांगात, देवदेवतां स्वाम्याच्या ताटांत जेवतात म्हणटा ती सत खबर ?

पयलो : हय, हय. सामकी सत खबर. पूण ताचें कितें आसा. स्वाम्याखातीर दवरिल्लें जेवणाचें ताट पयलीं देवदेवता उश्टायतात मागीर तातूंतले जिनस स्वामी तोंडांत घालतात आनी उपरांत उरिल्लें उश्टें प्रसाद म्हण सगळ्या भक्तांक वांटटात.

: स्वामी प्रत्यक्ष देवाकडेन उलयता ?

दुसरो : हय, हय उलयता आनी देवूय स्वाम्याकडेन उलयता.

: खंयचे भाशेंत ?

दुसरो : खबर ना. तें स्वाम्याक आनी देवाकूच खबर !

: स्वामी मूठ चलयता ?

: भूत देंवयता ?

तिसरो : असलीं फालतू कामां घाडी, भगत करता. त्या कामांक स्वामी कित्याक जाय ?

: स्वामी दिसता कसो ?

: स्वाम्याक वळखुपाचो कसो ?

जाणटेलो आबू : (मुखार येवन) हांव व्हडल्च्यान तुमच्यो गजाली आयकतां. आयकतां तसो घुस्पतां. म्हाका एक सांगात तुमी ज्यो तरांतरांच्यो गजाली सांगल्यो त्यो सगळयो

एकाच स्वाम्याच्यो काय वेगवेगळ्या स्वाम्याच्यो ? ह्यो गजाली वेगवेगळ्या स्वाम्याच्योच आसतल्यो. कारण आमचे देव जशे हजार तशे आमचे स्वामीय हजार. धर्माचे स्वामी वेगळे, पंथाचे वेगळे, थोडे स्वामी मठाचे जाल्यार थोडे पोटाचे. ह्या स्वाम्यांमदलो खंयचो स्वामी आमच्या गांवांत येता ?

(येदी वेळ फकत गजालिनी गुल्ल जाल्ले लोक भानार येतात.)

एकलो : स्वामी आमच्या गावांत येता अशें कोणे सांगलें ?

(एकामेकाकडेन चवकशी करतात)

: तो सांगपी आमचेमदलो न्हय. हावें ताका पळयला.

: हावेंय पळयला

(पळयला म्हणपाचें बरेचजाण मान्य करतात.)

: बरो उबार मनीस.

: ना, तसो बरोच गिड्डो.

: आंगलोटान बरोच मोटो.

: ना, मोटो म्हळ्यार तसो हाडकुटोच.

: मातसो काळसो आसूंक जाय.

: काळसो न्हय, गोरसो.

एकलो : (आत्मविश्वासान) तो मनीस, उंच-मोटवो, मोटो-बारीक, काळसो-धवसो कसोय आसू. पूण तो मनीस आमचेसारको न्हय इतलें हांव हड्ड्यार हात मारून सांगूंक शकतां.

आबू : तशें जाल्यार गजाल सामकी सोपी. गावांत आमचेसारको न्हय असो जो मनीस आसा, ताका सोदून काडपाचो. स्वाम्याविशीं तोच सारकें सांगपाक शकतलो.

(सगळ्यांक समजावणी पट्टा.)

एकलो : तशें जाल्यार कळाव लावं नाका. तो गावांतल्यान भायर वचत.

(सगळे लोक सोदासोद करतात. एकीकडेन 'सापडलो' 'मेळ्ळो' असो व्हडल्यान बोवाळ जाता. सगळेजाण थंय

धांवून वतात. व्हदळच्या अंकुशाक सगळे बळजबऱ्यां उबारून हाडटात. तो हातपांय वावुडटा. सगळे लोक उमेदीन म्हणटा तसो अंकुशाक हाडून मदीं दवरतात. सगळे कुशीक सरतात.)

: होच तो. होच मनीस.

: हाणेच स्वाम्याची खबर हाडल्या.

: सांग, आमच्या गावांत खंयचो स्वामी येता ?

: सांग.

(अंकुश आतां तोंड उगडटलो म्हण सगळे लोक शांत जातात आनी उमळशिकेन ताचे जापेक रावतात. अंकुश सगळ्यांचेर नदर मारता.)

अंकुश : (रागाभरशीं एक सणसणीत गाळ मारता.) सुण्यान झवतरेच्यानो, कितें समजतात तुमी स्वतःक ?

(अंकुशान घेतिल्ल्या निबर प्रतिकारान लोक चकाचूर जाल्यात.)

म्हज्या आंगाक हात लावपाचें धाडस कशें जालें तुमकां ? उखल्ली पोटली, माल्ली खांदार, हाडली, आपटिली ! हांव, हांव तुमचो रीणकारी काय मुंडकारी ? आसा धमक जाल्यार एक एकलो मुखार येयात.

(झगडपाचे तयारेंत हातापांयाबयली मुस्तायकी आसा तशी सारकी करता.)

अंकुश : कडेक सरात.

(वचपाचे तयारेन पावलां उखलता. ताका वचपाक लोक वाट करतात पूण अंकुश ते वाटेन वचना, लोकांवटेन वळटा. लोक तशी वाट करतात पूण तेवूय वाटेन वचना. आडांगीपणान भलतेच एके आडखळींतल्यान वचपाचो यत्न करता. लोक आपलेमदीं फुतफुततात. एकलो मुखार सरून ताका हडकिता.)

एकलो : आमी विचारपाक सोदी...

अंकुश : (वळून - ताच्या आंगार वचत) कितें विचारपाक सोदी?

: स्वामी आमच्या गावांत येता म्हणटा ती खबर कोणें हाडली ?

अंकुश : हावें हाडली. तुमचें म्हणणे कितें ?

: खबर खरी ती ?

अंकुश : (राग आजून निवळूंक ना) फट !

(आबू मुखार येता.)

आबू : पुता, शांत जा. ह्या सगळयांचे वतीन हांव तुजी भोगसुणी मागतां. तुजेर ताणी हात घातलो हें ताणी बरें केलें ना. गुन्यांव भोगोस ! गुन्यांव भोगोस !

(जाणटेलो आबू अंकुशाचे पांय धरता. अंकुश ताका पांयानूच कुशीन वडयता.)

अंकुश : मनीस जावन मनशाचे पांय धरता ? लज दिसना ? जड्डया !

(कांय वेळ सगळेजाण वगी.)

अंकुश : स्वामी चैतन्यकुमार तुमच्या गावांत येवपाचो आसा ही सत खबर. काल रातीच्या आपल्या प्रवचनांत ताणे आपणाल्या भक्तांमुखार आनी शिश्यांसांगाताक ही घोशणा केल्या. हावें म्हज्या दोळयांनी पळयलां आनी कानांनी आयकलां. आनी सगळयान म्हत्वाची गजाल म्हळयार स्वामी चैतन्यकुमारान एक संकल्प सोडला. आपणालो पयलो मठ ह्या गावांत बांदपाचें ताणे जाहीर केलां. ह्या संकल्पावेळार ताचे ओंठ साळकाच्या पांकळयांवरी थरथरताले आनी दोळे तेजस्वी मणयांभशेन चकचकताले. असो देखाव हांव पयलेच खेप पळयतालों.

: तुजें नांव कितें ?

अंकुश : कित्याक ? म्हज्या सांगण्याचेर विश्वास बसना ? नाका बसूं. मानू नाका खरें. येवपाचो स्वामी येतलोच. संकल्पाप्रमाण मठ बांदून वतलो.

: विश्वास आनी अविश्वासाखातीर न्हय. इतली बरी खबर तुवें आमचेखातीर हाडली. तुजें नांव कळ्ळयार

बरें.

अंकुश : कित्याक ? म्हजो जयजयकार करूंक ? म्हजें नांव तशें फालतू. अंकुश !

: (आडेचे तोखणायेन) अंकुश ! बरें नांव !

: पूण स्वामी चैतन्यकुमार आमच्या गावांत कित्याक येता ?

अंकुश : तें तुमी ताच्या भक्तांक वा शिश्यांक नाजाल्यार तशी धमक आसल्यार खासा स्वाम्याकूच विचारूं येता.

: म्हणजे तूं स्वाम्याचो भक्त –

अंकुश : न्हय. हांव स्वाम्याचो भक्तूय न्हय आनी शिश्यूय न्हय. तागेल्यो करण्यो पयसुल्यान पळोवपी एक मनीस. म्हाका दिसता - स्वाम्यांक हांव पयसुल्यान पळयतां म्हण चड बरो वळखतां. म्हजो आनी म्हज्या नांवाची उस्तवारी करचेपरस तुमी स्वाम्याविशीं येवजुवप बरें, अशें म्हाका दिसता.

: आमीय तशेंच येवजितात. तेचखातीर विचारताले, स्वामी आमच्या गावांत कित्याक येता ?

अंकुश : म्हजो अदमास आं, – तो चैतन्यकुमार देखून तुमच्या गावांत येता. तळपटच्या सडचार पावस कित्याक पडटा ? काळखांत काजुले कित्याक लिकलिकतात ? ह्या प्रश्नांक जर जाप आसा जायत जाल्यार तुमच्याय प्रश्नांक जाप आसतली.

: (उमेदीन) म्हजोच अदमास खरो जालो. स्वामी चैतन्यकुमार आमच्या उद्धाराखातीर आमच्या गावांत येता.

: मागीर आमकां बरें, कामधंदो करपाची कसलीच गरज ना.

: सदचो दिसवडो सोदपाक नाका.

: रोगपीडा जावच्यो नात, वखद - विर्सदाक खर्च ना.

: दीसरात स्वाम्याचे भक्त जावन रावपाचें.

: मठ जातकच तर विचारपाकूच नाका. मठाभोंवतणी

कावळे जावन घुंवपाचें.

(सगळे उमेदीन भरतात. अंकुश वचपाक वळटा. लोक ताका आडायतात.)

: आरे, अंकुश,

अंकुश : खबरदार म्हज्या आंगाक ह'त लायशात जाल्यार आं.

: आमी तुका विनंती करतां.

अंकुश : कसली विनंती ?

: येदो व्हडलो स्वामी आमच्या गावांत येता. आमकां ताचेविशीं कांयच खबर ना. तुज्यान आमकां थोडीभोव मदत करूं येता. न्हय, आमकां तूं मदत कर अशें आमी हात पसरून तुजेकडेन मागतां.

अंकुश : कसली मदत ? पटी दिवं ?

: नाका, तें आमचें आमी पळयतात.

अंकुश : मागीर आनीक कितें ?

: तूं आमचेमदीं राव. स्वाम्याच्या येवकाराची पूर्वतयारी करपाक आमकां मदत कर.

अंकुश : हांव कितें तोर्णां बांदूं ?

: नाका, तूं कसलेंच काम करूं नाका. फकत आमकां कितें करपाचें आनी कितें करपाचें ना तें सांग. असल्या कामांत आमी सामके नवे. आमकां कुस्कूट खबर ना. तूं तर स्वाम्यांक सामको लागशिल्ल्यान वळखता.

अंकुश : ना, पयसुल्यान वळखतां.

: कसोय जांव, पूण वळखता इतलें खरें.

अंकुश : तुमचें म्हणणे म्हाका कळ्ळें. पूण हांव तुमकां परवडपाचो ना.

: म्हणजे ?

अंकुश : परवडपाचो ना म्हणजे तसो दुडवांनी न्हय. म्हाका तुमची फुटकी कवडीय नाका. हांव म्हणटां - म्हज्या सभावाचें. म्हजो सभाव रागीश्ट. कितेंय म्हणटकच वा घडटकच म्हाका सट् जाता.

: आमचेंय म्हण तशेंच. म्हणजे तुवें एक गाळ मारप आनी जापेक हावें दुसरी गाळ मारप. जालें, बादाबाद !

अंकुश : म्हजें तितल्यार ना. फाटल्यान कुच्चय जाल्यार पयलीं गाळ मारपी आनी मागीर फाटीं वळून मूय कांय बापूय तें पळोवपी असलो सभाव. तुमच्या मानसन्मानाचें पळयात.

आबू : (अंकुशाक कडेक व्हरून) खरें सांगपाचें म्हळयार हांगासर आमकां तसो मानसन्मान बी कांय एक ना.

अंकुश : (सगळयांक) हावें आत्ताक पर्तें दिल्यार तुमी सोंसून वगी रावतले पूण हांव सोंसतलोच म्हण भरवसो ना.

: जाता, आमकां कोंताक येता.

(सगळे मानो हालोवन हयकार दितात.)

अंकुश : तशें जाल्यार बरें आसा. तुमचे विनंतीक मान दिवन हांव हांगासर रावतां. (बसता आनी अकस्मात उठटा.) पूण एक, स्वामी चैतन्यकुमार येयमेरेन रावतलों. एकदां तो येतकच खिणभर लेगीत रावपाक ना.

लोक : मान्य आसा, आमकां मान्य आसा.

एकलो : मागीर आमकां तुजी गरज नाच.

(सगळेजाण करा करून त्या मनशाक दटायतात. अंकुश बसता. तेसरशीं सगळेजाण ताचेभोंवतणी कंवडाळें करतात.)

एकलो : सांग, आमकां स्वामी चैतन्यकुमाराविशीं सांग.

(सगळे उमळशिकेन आयकुपाक रावतात.)

अंकुश : (तांचेर नदर भोंवडायत) जिवाचे कान करून रावल्यात, चार घोव केल्ले बायलेच्यो खबरो आयकुच्यो तशो. स्वामी चैतन्यकुमार हेर स्वाम्यांसारको न्हय.

(अकस्मात अंकुशाक व्हदळचो उगडास येता आनी तो पिडळून उठटा.)

तपशिर ! व्हदळ सगळयान पयलीं म्हजेर कोणे हात घातलो ? फाटल्यान गळयाक काम घालून म्हाका कोणे

उबारलो ?

(एकलो सद्भावार्तीन 'आपणे' म्हण सांगपाक मुखार येता. बाकिचे ताका दटावन तसोच चेपून दवरतात. अंकुश आपशींच शांत जाता.)

तुमी आतां म्हजेभोंवतणी अशेच गिदां कशे बसून रावतले ? स्वामी येवपाक आजून दीस आसात.

: तें एक बरें जालें. म्हणजे ताकतीक ना.

: स्वामी केन्ना येतलो ?

: कसो येतलो ?

(अंकुश वयर बोट दाखयता.)

अंकुश : (तिडून) तुमच्या प्रश्नांच्यो जुस्ताजुस्त जापो दिवपाक हांव तुमचो पगारी नोकर न्हय, समजलें? तो येवपाच्या आदल्या दिसा हांव तुमकां सांगतलों.

: खूब जालें.

अंकुश : तो फाल्यांच येतलो अशें धरून चलात,

: आनी समजा स्वामी फाल्यांच आयलो जाल्यार ?

अंकुश : आयलो जाल्यार कितें? गावांत पावल दवरिना फुडें दोनय हातांचो पोसो करूय बागवतलो आनी म्हणटलो, घोटभर उदक !

अंकुश : स्वामी गावांत पावल दवरिनाफुडें ताची पयली मागणी हीच आसता. घोटभर उदक पियेवन स्वामी तृप्त जातलो आनी सगळ्या भक्तांचीं पोटां उदक पिल्ल्यावरी तट्टदलीं.

: मागीर ?

अंकुश : मागीर कितें ? चड उदक पितकूच जें जाता तेंच सगळ्या भक्तांचें जातलें.

: चमत्कार !

अंकुश : पयलो चमत्कार, दुसरें नैसर्गिक.

: आमचेखातीर सगळेच चमत्कार !

अंकुश : स्वाम्यांखातीर घोटभर उदक आसतलें न्हीं ?

: नासपाक कितें जालां तर !

अंकुश : स्वामी ज्या गावांत येना त्याच गांवचें उदक पिता.

: म्हणजे ?

अंकुश : म्हणजे एका गावांत रावप आनी दुसऱ्या गांवचें उदक पिवप अशें करिना. ह्या गावांत रावतलो आनी ह्याच गांवचें उदक पियेतलो

(सगळ्यांचीं तोंडां चिंतेस्त जातात.)

अंकुश : तुमी अशे चिंतेस्त कित्याक जाले ? तुमचे बांयक उदक ना ?

आबू : ताचें कितें आसा - आमच्या जाणटेल्यांचे सांगणेप्रमाण गावांत बांय मारपाक जायना.

अंकुश : कित्याक ?

आबू : ती एक आख्यायिका कशी आसा. पयलीं खंय गावांत एक बांय आसली. तर गावांतल्यो सुनो खंय त्रासांक उबगून उबगून ते बायंत जीव दिवपाक लागल्यो. हाडिल्ली सून बायंत घालून घेवपाक लागली. मागीर सगळ्या गावांन ती बायूच पुरयली खंय आनी नवीन बांय मारप ना अशें थारायलें.

अंकुश : बांय पुरयच्या बदला बायलांचे त्रास बंद करूं येताले न्हय ?

आबू : जे शक्य आसा तें आमगेल्या जाणटेल्यांनी केलें.

अंकुश : आतां तुमची उदकाची गरज कशी भागता ? सकाळचे वेवहार कशे करतात ? चरोव वापरतात काय झाडाचीं पानां ? न्हातात कशे ? आठ दिसांनी काय पंदरा दिसांनी ? न न्हावपाचीय जाणटेल्यांची एखाद्री आख्यायिका आसतली.

: तशे आंग-पांग धुवपाचे सगळे वेवहार गावांभायल्या व्हाळां-होंडक्याचेरूच घडटात.

अंकुश : गावांतल्या घरांनी रांदप चलता काय ना ? थंय उदक-पाणी खंयचें हाडटात ?

: आरे, हय मरे. तें उदक खंयच्यान हाडटात काय ?

आबू : म्हणजे ताचें कितें आसा – रांदपा सवरपाचीं सगळीं कामां बायल - मनशांच करतात तीं खंयच्यान तरी हाडटात उदक पुंजावन. खंयच्यान तरी हाडटात म्हणजे खंयतरी तें उदक आसूंक जाय. खंयतरी म्हणजे झऱ्याक, व्हाळाक अशें खंयतरी.

(गोंदळटा. हेरांक दटायता)

तोंड वरशें करून होने कशें कितें पळयतात रे? न्हय, बायलांक आपोवन हाडात. उदक खंयच्यान हाडटात तें कळपाक जाय.

(चार - पांच जाण धांवत - धांवत वतात)

आबू : (अंकुशाक) मानसो राव. उदकाचो सोक्षमोक्ष आतांच लागतलो. (आपले भितर) रांदपा - शिजोवपाक उदक वापरतात आनी खंयच्यान हाडटात तें खबर ना म्हणजे कितें!

(धांवत गेल्ले चार - पांच जाण, पांच - स बायलांक गोरवां कशीं फाटीक लागून धांवडावन हाडटात. तीं काचाबूल जावन उबीं रावतात. जाणटेलो तांकां दटावन विचारता.)

आबू : तुमी बायलां उदक खंयच्यान हाडटात? हांगासर आत्तां कळपाक जाय.

(बायलां एकामेकाक तुकूतुकू करून पळयतात. एकली धीर करून जाप दिता.)

बायल : जाणटेल्या आबो, तुका आनी सांगपाक जाय? बायलांची जात आनी खंयच्यान उदक हाडटली? आमी दोळ्यांतल्यान उदक हाडटात.

(सगळे दादले बायलांच्या आंगार झुडोवन वतात. बायलां, भंयान थंयचीं कडसरतात आनी आयिल्लीं तशीं धांवपाक लागतात.)

अकुंश : (आड्डून) बायलांच्या दोळ्यांतल्यान उदक काडून ताचेर जियेवपी बंधवानो, हांव सांगतां तें चत्रायेन आयकात.

स्वामी चैतन्यकुमारान जर घोटभर उदकाखातीर पोसो पसरलो आनी तुमी जर ताच्या पोशांत गांवच्या उदकाचो एक थेंबूय वालपाक शकलेना जाल्यार अतृप्त जाल्लो स्वामी त्याच हातान तुमकां स्त्राप दितलो. स्वामी चैतन्यकुमाराक जमदग्नीचो दायजी लेखतात.

(लोक काचाबूल जातात.)

: आतां कशें जावपाचें ?

अंकुश : बांय खणपाची.

आबू : पूण गांवच्या सुनांचें कशें ?

अंकुश : तांची काळजी गावांतल्यो मांयो घेतल्यो.

भुरगोसो : बांय खणपाची म्हणजे खुबूच कश्ट पडटले न्हय ?

अंकुश : तुज्या तोंडांतल्यान तुगेलो पुर्वजूच उलयलो. खूब कश्ट पडटले खरे पूण स्त्रापांत सापडचे परस ते कश्ट परवडले.

: बांय मारपाचीच जाल्यार ल्हानशी मारची. स्वाम्यापुरती. स्वाम्याक उदक पावल्यार पुरो. आमकां आसाच परगांवचें व्हाळ आनी होंडके.

अंकुश : स्वाम्याक फकत एके बांयचें उदक पावतलें ? ईश्वराचो खीण आनी मनशाचो खीण जसो एक न्हय, तेचपरी स्वाम्यान घेतिल्लो उदकाचो घोट आनी मनशान घेतिल्लो घोट सारको न्हय.

आबू : तशें जाल्यार आमी बांय वांटचाचें एक व्हडलें तळेंच खणल्यार कशें ? म्हणजे बांय खणप ना, ही जाणटेल्यांची सांगणीय पाळिल्लेभशेन जातलें.

अंकुश : कल्पना बरी आसा.

: पूण व्हडलें तळें म्हळयार कश्ट खूब करचे पडटले न्हय ?

(सगळेजाण कश्टाखातीर का कूं करतात.)

अंकुश : झुजाऱ्यांनी तरसादीक भिवचें तशे तुमी कश्टकरी आसून कश्टांक भियेतात. तुमचे आवयचो विचार करात. मुखावयल्या कश्टांक भियेवन तिणें जर तुमकां पोटांतल्या पोटांतूच व्हळोन वडयिल्ले जाल्यार ?

आबू : हांव कश्ट करपाक तयार आसा. पूण म्हजी कूड म्हाका कितलो सांगात दीत सांगपाक येना.
अंकुश : कुडिचें बरें आसा. तुजें मन दी.
आबू : (खोशयेन) पावलें !
लोक : आमचींय मनां तुका पावलीं.
अंकुश : फकत मनां न्हय, मनां आनी कुडी.
लोक : पावल्यो !
: आनीक कितें जाय तें सांग.
अंकुश : तळें खणपाचें म्हणटकच–
: पिकास, कुदळी, खोरीं,
: शेणें, घण, लवंगां,
: कायली - बियली.
: सगळें आसा. पूण वापरूं नासून कळमेलां.
: आयिद्दां एकदां कामांक लागतकूच तांकां आपशींच धार चडटली.
: सांग, आनीक कितें जाय ? तुजेखातीर आमी जाय तें करपाक राजी आसोंत.
अंकुश : न्हय, न्हय, म्हजेखातीर न्हय. तुमच्या गावांत येवपी स्वाम्याखातीर. स्वामी चैतन्यकुमाराखातीर !
: हय, स्वामी चैतन्यकुमाराखातीर.
(अंकुशाच्या कपलार चितेच्यो आंठयो पडटात.)
: असल्या वेळार तुज्या कपलार आंठयो कित्याक ?
: तळें खणपाखातीर मनीस आसात, आयिद्दां आसात. आनीक कितें जाय ?
अंकुश : जाय एक वस्त.
लोक : कसली ?
अंकुश : वावराखातीर, कामाखातीर सूर जाय सूर.
: सूर जाय ? हाडूंया.
अंकुश : मन आनी श्रम हांचो मेळ बसोवपी सूर.
कश्टांक वेग दिवपी सूर.

माथ्यावयलें वजें ल्हवपीक करपी सूर.
म्हजो आनी तुजो मेळून एक जाल्लो सूर.
कानयेंत कानी पिळून तयार जाता दोरखंड,
तसो तयार जाल्लो सूर.
(लोक गोंदळटात.)

: ना, असली कसली वस्त आमचेमदीं ना.

अंकुश : ना कशी तर? आसुंकूच जाय. शेणयल्या आसतली तुमी. सोदात.

: खंय सोदूं ?

अंकुश : सोदात.
पीठ दळटा त्या दात्यार,
भात कांडटा त्या वायनार.
नड्णेच्या शेतार, लुंवणेच्या भातार.
भाजयेच्या मळ्यांत, आनी घरामुखावयल्या खळ्यांत.

आबू : म्हाका हयन्हयशी याद जाता. आमच्या पुर्वजांकडेन तूं सांगता तसलीच एक वस्त आसली. सुतां-पुनवेउपरांत दर्याची उचंबळाय शांत जातकच खारव्यांलीं धडेवयलीं तारवां दर्यांत लोटपाखातीर आमगेलेच जाणटेले वताले. फकत तारवां दर्यांत लोटपाखातीरूच न्हय, बळां मारून तांगेल्यो रापणी ओडपाचेंय काम आमगेले जाणटेले करताले खंय. आनी दोंगरावयले व्हडले व्हडले रूख कातरून तांचीं लाटां लंवडून मुळसांत हाडपाचें काम आमगेल्या पुर्वजांचेंच. आतां तें काम हती करतात. हती हें काम आमच्या पुर्वजांकडसूनच शिकल्या आसूंक जाय. आनी दोंगरा वयल्यान बरी याद जाली. खेतोबा दोंगरावयली बारा हातीं बेताळाची पाशाणी मूर्त त्या दोंगराचेर कोणे चडयली ? आमच्या पुर्वजांनी. फकत चडयलीना, उबी केली. ह्या सगळ्या कर्तुबांवेळार तांचेकडेन तूं सांगता तसलीच एक वस्त आसली. पूण नेमकी कसली ताची याद जायना.

(जाणटेलो सांगता त्यो गजाली लोक अजापून आयकतात आनी पुर्वजांच्या अभिमानान खोशी जातात.)

अंकुश : खेतोबाचो दोंगर तुमी सगळयांनी पळयला ?

लोक : हय.

अंकुश : आनी पळयल्या बेताळाची मूर्त ?

लोक : हय.

अंकुश : बारा हाती मूर्त अशी आसा म्हजेवरी उबी ?

लोक : हय.

अंकुश : उबी करचे आदीं अशी असली आडवी ?

(मूर्तीवरी आडवो जाता. लोक ताका सांबाळटात आनी अचळय सकयल दवरतात)

लोक : हय.

अंकुश : जडभार आडवी मूर्त कशी जाली उबी ?

(जाणटेलो मुखार येता. अंकुशाची कूड जड आसा अशें मानून तिका उबी करपाखातीर सगळे हात लायतात. जाणटेलो नेट येवपाखातीर तोंडांत 'लायात रे हात' 'काडात रे वयर' अशें एक एक उतर म्हणटा आनी बाकिचे सगळे एका तालार 'ओ सोय' अशें म्हणटात. लोक उमेदीन अंकुशाक उबो करतात आनी ताचे भोंवतणी रावून 'ओ सोय', 'ओ सोय' करीत रावतात. त्या म्हणपाक एक सूर आनी ताल लावता. त्याच सुरा-तालार लोक धोलपाक लागतात. एकलो भेंड मोडून गीत गायत नाचता.)

एकलो : आगो लाकडां वयताना तुकां भावोजी बोलयता गो
तुकां भावोजी बोलयता

तांबडें कापड न्हेसल्यार तुकां रुपय दाखयता गो
तुकां रुपय दाखयता

आंगो आबोलेचो घोण तुजे ताळयेर मगो
तुजे ताळयेर मगो

असो भावोजी बोलयता तुकां माळयेर मगो
तुकां माळयेर मगो

दुसरो : (घेणल्यावरी नाचत)
घे घेणल्यो रे घेणल्या पावस शेणल्यो
आमचो घेणलो गेलो वांगडी
आनी केळयांच्यो साली खावन पोट रगडी
(कांय जाण पंगड करून शिगम्यांतली जोत खेळटात.)

पंगड : अशी न्हाली ना धुली
चोळी कशी ओली

आनी तवश्याची पिपरी खायन
बारकूण जाली

(पयसुल्यान आवाज आयकून बायलां लागीं येतात. पयलीं कवतुकान दादल्यांक पळयतात आनी मागीर तिवूंय तांचे पंगड करून नाचपाक लागतात. दादल्यांचो एक पंगड जागरांतलें गीत गावन नाचता. अंकुश एका लोकनाचाची धून आपणायता आनी तेच धुनीचेर आपणालीं उतरां घडोवन गायता आनी नाचता. लोकय ताका सांगात करतात.)

अंकुश : स्वामी चैतन्याचीं राया पावलां वाजता
स्वामी चैतन्याचीं राया पावलां वाजता

खोऱ्या कुदळीवयली राया कलम झडटा
आडवीं धडां आयज उबीं जाता
उबीं उबीं भेंडां आयज बाग घेता
दडी मारून आसलो वाव आयज व्हांवता
शेणून गेल्लो सूर राया आयज गावता
(अंकुशा वांगडा सगळे गावन नाचतात.)
खण खण खण राया खण कुदळीं
मण मण मण राया मण माती

(गीताच्या तालार लोक फापसवात. आशिकुशीक वयतात. खोरें, कुदळी, पिकास, कायली घेवन येतात. तळें खणपाक जागो सोदतात. जाणटेलो हांगा-थंय अदमास घेता लोक आयिद्दां घेवन-ताच्या फाटल्यान धांवतात. एक सुवात जाणटेलो वेंचून काडटा. थंय देवस्पणशें करता. पिकास कुदळीवाले भराभर थंय खणपाक लागतात. खोरें-फावडेवाले माती कायलींनी भरतात. ती कामेऱ्यांच्या माथ्यार उखलतात. भुरग्यांच्या माथ्यार बारीक-मोटे फांतर उबारून दवरतात. खणिल्ल्या माती फातरांची कुशीस रास जाता. तळें खणपाचो वावर सुरू जाल्ल्याची खात्री जातकच अंकुश थंयच्यान कडसरता. वावर चालू आसताना बारीक-मोटे अपसेग-अपघात अदींमदीं घडत रावतात. एका खणटल्याच्या कपलार पिकासाचें तोंक बसता. तो पिकास कडेक वडोवन न्हिन्नळटा. कांयजाण ताचें रगत पुसतात. ताका सावचीत करतात. फातर माथ्यार घेतना एका भुरग्याच्या पांयार फातर पडटा. तो हुयेली मारीत कुटत कुटत धांवता. एके बायलेक माथ्यावयली भल्लेली कायल पेलना. ती झिडपता. पडटा. ओंकता. बाकिचीं कामेऱ्यां तिका सावचीत करतात. असले कांय किरकोळ अपसेग घडटात. पूण मूळ खणपाच्या वावराचेर कसलो परिणाम जायना. जाणटेलो सगळ्या कामांकडेन लक्ष दिता. गरज थंय, तांकता तसो आपूणूय हात-बोट घालता. खूब दीस हो वावर चल्ला, हे काळोख उजवाडाच्या प्रतिकांतल्यान स्पश्ट जाता. आतां कामाक निमाणो नेट चडला. तळयाचें काम सोपपाकडेन पावलां. आनी एकदांचें काम सोंपता. वावराचीं आयिद्दां लोक कडेक दवरतात. घाम पुसतात. बिसव घेतात.)

: गरजे परस चड खणून जालें.

: सादें तळें न्हय. हें खूब मोठें तळें जालें.

: ह्या आसमंताक असलें तळें दुसरें ना. आनी जावचेंय

ना. तोंडांत वडोवपाच्यो गजाली न्हय त्यो.

: ध्या जाणांनी हात घातलो म्हण जावन पडलें.

: आतां ह्या वाठारांत शेणिल्लीं गोरवां ह्या तळ्यांर सोदपाचीं.

: म्हणजे ?

: सगळीं गोरवां उदक पिवपाक ह्याच तळयार येतलीं.

: पूण तळयाक उदक केन्ना लागतलें ?

: केन्नाय. म्हणजे खंयच्याय खिणांक लागूं येता.

: लागलांय आसतलें.

: ना. हांव सामको तळाक काम करतालों. सगळयान निमाणी हांवूच बयर सरलां. उदक लागूंना. पूण थेंबेता. थेंबेता ताचोच पाजर जातलो.

: आतां अवघ्या दिसांचो प्रश्न.

: दिसांचो ? अवघ्या वरांचो.

(बांयलां एकीकडेन रावून उलयतात.)

: तळयांत केन्नाकाय उदक पळयनशें जालां.

: तळयांतल्या उदकांत म्हजे म्हाकाच पळयनशें जालां.

: बरी दिसता गे तूं !

: एकदां उदक लागतकच मागीर सासणाची दगदग सोंपली.

: उदक लागनाफुडें हांव सगळीं गाडकीं - मडकीं भरून दवरपी.

: शी बाये, गावांत हाताकडेन उदक आसतकूच सांठोवन दवरपाची कसली गरज ?

: हांव सदचे पेजेंत घसघशीत उदक घालपी. जेवतल्यांक पियेवंदी पोटभर पेजे निवळ. जावंदी जीव घादोस !

: सगळयान पयलीं हांव माथ्यार न्हावपी. कितलो तेंप जालो, कुळरा गेल्ली तेन्ना माथेंभर न्हाल्लीं.

: उदक घरा हाडून न्हा, नाजाल्यार तळयार न्हायशी.
(सगळीं हांसतात.)

: तळेंभर उदक पळयतकच म्हाका कितें दिसतलें जाणा ?
: कितें दिसतलें ?
: तळचांत जीव दीन दिसतलो !
(हांसतात.)
: पुरो, पुरो. तुवें आनी तळचांत जीव दिवपाचो उरूंक ना. तुज्या आदल्या सुनांनी बांयत जीव दिल्यात.

(एकलो बोवाळ करीत धांवत येता.)

एकलो : ओय, ओऽऽ तळचाक उदक लागलें. तळचाक उदक लागलें.
(दादले - बायलां सडसडीत उठटात. ताचे भोंवतणी एकठांय जातात.)

एकलो : थेंब थेंब थेंबेतालो थंयच पाजर फुटलो. झरो घसघशांचो. म्हज्या जिवाच्यान तर. पळयतां थंय आसा. इतल्याचें इतलें जालें. म्हजो आवरोच उडलो ! अशें घसघशांनी उदक म्हण पळोवं येता ? आवयस म्हजे ! जीव वाटावलो तो व्हडलो. थंयच खोशयेन हड्डें फुटून प्राण वचपाचो.
: म्हजेंय काळीज दुबळें आसा. म्हज्यानय् इतलें उदक पळोवपाक जावंचें ना.
: जांचीं काळजां दुबळीं आसात ते फाटीं रावात. आमी चल्ले उदकाचे भेटे. (बायलांक) ए बायलांनो, उदकाचीं आयदनां हाडात.
(दादले बायलां सगळे तळचाकटेन धांवपाक लागतात. मुखावयल्यान अंकुश येता. अंकुशाक पळोवन सगळे थारतात.)
: तळचाक उदक लागलां.
अंकुश : म्हाका खबर आसा.
: चल, तळचांत पयलो तांबयो तूं बुडोवन काड. पयलें घोटभर उदक तूं पिये.
अंकुश : ना, त्या तळचांतलें घोटभर लेगीत उदक पिवपाचो

अधिकार म्हाका ना.

: अधिकार ना कित्याक ? आमी सांगतात तुका.

अंकुश : तो अधिकार म्हाका ना आनी तुमकांय ना. त्या तळयांतलें पयलें घोटभर उदक पिवपाचो अधिकार स्वामी चैतन्य कुमाराचो. ताचेच प्रेरणेचें फळ तें. एकदां ताणे उदक उश्टयतकीच –

: पूण स्वामी हांगासर केन्ना येतलो ?

अंकुश : ताणे एकदां हांगासर येवपाची घोशणा केल्या म्हणटकच तो हांगासर आयिल्ले भशेनूच जाता. तो प्रत्यक्ष हांगासर नासलो तरी ताची जागृत सासाय ह्या गावांत भल्या. हांव तुमकां इतलेंच शिटकायतां, तुमी स्वामी चैतन्यकुमाराचे कृपेक पात्र जायात. तागेले अवकृपेचे बळी जावं नाकात. म्हजी सांगणी तुमकां उस्तुऱ्यां वचूं येता. तानेन कळवळटल्या मनशाच्या तोंडामुखाबयलो उदकाचो पेलो हांव बळजबऱ्यां काडून घेतां अशेंय तुमकां दिसूं येता. तशें दिसल्यार मर्जी तुमची. म्हजो नाईलाज आसा.

(वचपाक वळटा. लोक ताका थातारून धरतात.)

: ना, आमी तुजे सांगणेभायर नात. उदकाखातीर आमी कश्ट केल्यात खरे पूण मूळ प्रेरणा स्वाम्याचीच.

: स्वाम्यान उश्टायले बगर आमी उदकाचो थेंब लेगीत तोंडांत घेनात.

अंकुश : दोळयांत तेल घालून तळयाची राखण करात. तळयाचे राखणेखातीर एक राखणदार नेमात.

: कल्पना बरी आसा.

: कोणेतरी एकल्यान मुखार सरपाक जाय.

(लोकांमदलो जाणटेलो आबू मुखार येता.)

आबू : हरशीं म्हण म्हाका कश्टाचीं कसलीं कामां पेलनात. तळयाचे राखणेचो पत्कर हांव घेतां. (अंकुशाक) पूण म्हाका एक सांग - मनशांपासून उदकाची राखण करूं येता. गोरवां - वासरां आनी सुणी - सावजां हांचेपासूनय

राखण करूं येता. पूण सवण्या - सुकण्यांपासून, पाख्यां-
पिसोळ्यांपासून उदकाची राखण कशी करपाची ?

अंकुश : तांचें बरें आसा. तळ्यांतलें उदक फकत आपणांखातीरूच भल्लां असो ते मोन्नजातीचो समज जावं येता. पूण तुमचें तशें ना. तळ्यांतलें उदक कोणाखातीर आसा हाची तुमकां पुराय खबर आसा. सावदां - सुकण्यांक जी भोगसुणी फावता ती तुमकां केन्ना फावची ना. आपणाले प्रेरणेन निर्माण जाल्ल्या उदकाचो पयलो घोट तुमी घेतलो हें स्वाम्यांक जर कळत – आनी तांका तें कळ्ळेबगर रावचें ना. जाल्यार कितें जातलें तुमकां खबर आसा ? उदकाखातीर तुमी सासणाचे भिकारी जातले. असलें एक न्हय, धा तळीं माल्लीं तरी तळाक उदकाचो एक थेंब लागचो ना. माथ्यावयलो घाय पेकोवपाखातीर अश्वत्थामो जसो वर्सांचीं वर्सां दारानदार भीक मागता तशे तुमी पिळग्यान पिळगी तापिल्ल्या ताळ्याचेर थेंबभर उदक पडचें म्हण विडविडत रावतले. तुमचे बांयची आख्यायिका जाल्या तशी हिवूय एक आख्यायिका जावन पडटली.

लोक : (आड्डून) ना, अशें आमी जावपाक दिवचे नांत.
(पयसुल्यान एकलो भुरगो हुयेली मारीत येता.)

भुरगो : ए, ए, हांव उदक पिलों. पोटभर उदक पिलों.
(सगळ्यांमदीं आरड मारून नाचता. सगळे लोक भंयान काचाबूल जाल्यात. भुरगो जाणटेल्या आबूक वेंग मारता.)

भुरगो : आबो, तुवें मारिल्ल्या तळ्याचें हांव उदक पिलों.
(सगळे काचाबुल जाल्यात ते पळोवन भियेता.)
आबो, कितें जालां रे? हावें उदक पियेवपाक फावनासलें?

आबू : (अंकुशाक) पोराक भोगसुपाक जावचो ना ? नेणार तो, नातू म्हजो ! ताका आवय ना, बापूय ना.

अंकुश : ताका क्षमा करपी हांव कोण ? जाय जाल्यार तुमच्यांनी ताका भोगसुणी दीवं येता.

लोक : पूण...

अंकुश : मुखावयलें अरीश्ट चुकपाचें ना. हाच्यान जर उदक पियेवं येता जाल्यार तुमचेमदल्या दर एकल्यान तें पियेवं येता. स्वामी चैतन्यकुमाराचो तुमी अनादर केलो.

: हाचेर उपाय ?

आबू : नातवाची ख्यास्त हांव घेवपाक तयार आसां.

अंकुश : नातवाची ख्यास्त तूं कशी घेतलो ? ताचें तोंड म्हळयार तुजें तोंड न्हय. ताचें पोट म्हळयार तुजें पोट न्हय. ताची ख्यास्त ताणेच घेवची पडटली.

आबू : (नातवाक पोटाकडेन कवळीत) कसली ख्यास्त ?

अंकुश : कोणे एकल्यान अपराध केलो आनी धा जाणांनी ताका मान्यताय दिली जाल्यार तो अपराध धा जाणांनी केलो असो ताचो अर्थ जाता.

: आमकां तशें जाल्लें नाका.

: आमकां स्वाम्याची कृपा जाय. अवकृपा नाका.

अंकुश : तशें जाल्यार ह्या पोराच्या पोटांतलें उदक तागेल्या रगतांत भरसुचे आदीं भायर काडात. तळ्याचें राखणेक नेमिल्ल्या राखणदारान फुडाकार घेवचो.

(पोर आज्याक घट्ट वेंग मारता. सगळे लोक बुचकळयांत पडल्यात. पोटांतलें उदक कशें भायर काडप, हाचें तांका तांकां कुवाडें पडलां. ते मोटे उमळशिकेन अंकुशाकडेन पळयतात. अंकुश 'पोराक उरफाटो करचो' अशें हातानी दाखयतात आनी एका झटक्यासरशीं थंयच्यान वता. लोक धांवून वचून आबूचे वेंगेंतलो भुरग्याक ओडून काडटात. पांयाक धरून उरफाटो करतात. बायलांची भंयान गुळी जाता. भुरगो बोबो हुयेली मारता. लोक ताका तसोच पयस व्हरतात. भयांकृत अशा कापऱ्या आवाजांत पयसुल्ल्यान पोरण्याच गितांचीं उतरां आयकूंक येतात.

स्वामी चैतन्याचीं राया पावलां वाजता.

काळोख जाता.)

(तळचाचे धडेर जाणटेलो आबू हातांत दांडो घेवन उकणयां बसला. आदलो आबू आतां बदलला. थतर वितर जाला. उकणयां बशिल्लेकडेन तो झेमेता. पयसुल्ल्यान बायलांचो आवाज ताच्या कानार पडटा आनी तो सडसडीत जागो जाता. धांवत वचून तो तळचाची वाट आडयता. बायलांचो एक पंगड हातांत आयदनां घेवन उदकाक वता.)

आबू : तळचाचें उदक व्हरशात.

: ना, ना. व्हरना.

: आमी आपलीं आदलेवरीच वतात उदक गरोवपाक.

: घरदार भल्लां खातल्याचें तोंड धल्लां तशें जालां आमचें.

: (फाटली याद करून) आबो, आमी बायलां खंयच्यान उदक हाडटान तें खबर आसा न्हय ?

(सगळीं हांसतात आनी तशींच मुखार वतात.)

(आबो परत हातांत दांडो घेवन उकणयां बसता. झेमेता. शेवण्यांचो आनी गोरवांचो आवाज कानार पडनाफुडें तो सडसडीत जागो जाता आनी आड्डता.)

आबू : एऽऽ खबरदार उदकाक तोंड लायशात जाल्यार. उरफाटी करून उदक रकोवन काडटलों. म्हजो नातू उदक पियेवपाक शकना जाल्यार तुमी कोणूच किडीमूय पासून उदकाक आपडूंक शकना. एऽऽ खबरदार !

(पयसुल्ल्यान गीताचे सूर कानार सादतात. आबूच्योच त्यो भावना. त्या गीताच्या तालारूच आबू हातांत दांडो घेवन ताच्या फाटल्यान लागता.)

आबो आबो धांव रे उदक खायलें
आबो आबो काम कसलें कपनखायरें

गोरवां आनी वासरां म्हसरां - पोसरां
तळचाधडेर पावलीं बोकडां - मेंढरां

तळयामाथ्यार घुंवता शेवणी माणकुलीं
निळीं आनी हळडुवीं रंगी - पिसोळीं

आबो आबो सांबाळ दोके मोडशी
आबो आबो सांबाळ पाखां तोडशी

राख राख राख आबो तळें राखता
मर मर मर आबो उदकाक मरता

(सगळया फाटल्यान धांवतना आबू कासावीस जाता. तानेन तानेला. इतल्यान व्हदळ उदकांक गेल्लीं बायलां उदक घेवन परततात. आबू तांचेकडेन उदकाखातीर गळवजा येता. एक बायक ताका उदक घालता. आबू पोशान उदक पिता. ताका ताजसाण येता. बायलां ताची काकूळट करून हांसतात आनी तशींच मुखार वतात.)

(एकीकडेन कांयजाण जमल्यात आनी उलयतात. बाकिचे मागीर येवन तांच्या गजालिनी वांटो घेतात.)

: हो स्वामी येतलो तरी केन्ना ?

: येतलो तरी मरे ?

: स्वाम्याखातीर घोटभर उदक जाय आसलें. माल्लें तळें. आतां भाणां - भाणां उदक. खंय आसा पिवपी ?

: पूण स्वाम्याक उदकाक घोंट मारूक जाय न्ही ?

: तळें खणपी आमी पूण –

: उदक पियेशी जाल्यार पांय वयर आनी तकली सकयल.

: हें सगळें त्या अंकुशातीर घडटा.

: आरे, तागेलें सगळें सोसून घेवपाचें थरलां न्ही. स्वाम्याखातीर, स्वामी चैतन्यकुमाराखातीर.

: धनयाचें आजून दर्शन ना आनी सुण्याचें भोंकप चालू.

: ताका असल्या उतरांनी निंदप बरोबर न्हय.

: कित्याक बरोबर न्हय? पयल्याच दिसा आबो पांय धरपाक

गेलो तेन्ना ताणे आबोचेर खोंट- माल्ली ना ?
कितेंय बऱ्याचें जाता जाल्यार खोंटो खावपाकूच जाय न्हय ? तो संवसाराचो नेमूच आसा.

: स्वामी येनाफुडें ह्यो सगळयो गज़ाली स्वाम्याच्या कानार घालप.

: ती चाडी जातली.

: जांव चाडी. सत न्हय तर तें ?

: तें सत जाल्यार स्वाम्याक आनी वेगळें सांगपाची गरज कितें ? स्वामी अंतर्यामी आसतात. तांकां सांगचे आदींच सगळें कळटा.

: पूण स्वाम्याक अंकुशाविशीं सांगून उपेग कितें ? अंकुश स्वाम्याचो भक्तूय न्हय आनी शिश्यूय न्हय तो ताका लागसुल्ल्यान काय पयसुल्ल्यान वळखता तितलेंच.

: खरें म्हळयार असल्या मनशाचेर पातयेवप म्हणजे आपल्याच पांयार आपणें फातर मारून घेवप.

: आमी जाल्यांत खामसुत्री बावलीं !

: स्वामी येता तेन्ना आमची सुटका !

: बावल्यांक कसली सुटका ? बावल्यांक बंदखणूय सारकी आनी उवतें मळूय सारकें.

: स्वामी गावांत पावला म्हणपाची खबर आयकुपाक कान सामके आशेल्यात.

(इतल्यान बापूय आनी पूत सोबुये अशे दोगजाण मोटे उमेदीन येतात. गजाली मारपी उमळशिकेन तांकां येवकार दितात.)

: कसली तरी बऱ्याची खबर आसूंक जाय. बापूय पूत सामके हांसत्या तोंडान आसात.

बापूय : बऱ्याचीच खबर.
(पूत लजता.)
तूं सांगता काय हांव सांगूं ?
(पूत परत लजता.)

बापूय : म्हज्या पुताक सोयरीक आयल्या. परकी गावांतल्यान.

: हातूंत अजाप कसलें ?

: आरे बैल बांगर जालो म्हणटकच जोतकाराचें ताचेर लक्ष वतलेंच.

: एरंड वडटकच खुंटांखातीर ताचेर नदर पडटलीच.

: पुताक सोयरीक आयल्या खंय ! गायेगेर रेडको जाल्ल्याचें अजाप करून सांगता !

(सगळे बापाय-पुताचीं फकाणां मारून हांसतात. पुताक लज लज जाता. तेसरशीं पुताचो बापूय लोकांचेर तिडकता.)

बापूय : हात् कपनखायऱ्यांनो, म्हजीं आनी म्हज्या पुताचीं फकाणां मारतात? म्हज्या पुताक परगावांतल्यान सोयरीक आयल्या हाचें तुमकां अजाप दिसना ? सांगात म्हाका, हाचेआदीं अशे तरेची सोयरीक तुमच्या कोणा पुताक खंयच्या गावांतल्यान आयिल्ली ? कोणाक येवना. सगळ्या न्हवऱ्यांनी आनी न्हवऱ्यांच्या बापायांनी परक्या गावांनी वचून पदर पसरावन, भीक मागून सोयरीको जोडल्यात. आरे, ह्या गावांत आपूण जावन कोणच केन्ना आपणाली धूव दिवंना. तें पयलेंच खेप म्हज्या पुताचे बाबतींत घडलां. हें घडलां तें म्हजें तोंड पळोवन न्हय, पुताचो पराक्रम पळोवन न्हय. आमच्या गांवचें तळें पळोवन हें घडलां.

(लोकांक ल्हवू ल्हवू समजावणी मेळटा आनी तेवूय बापायपुताचे खोशयेंत वांटेकार जातात.)

: बरोबर आं, उदकाच्या दगदगाक लागून परकी गावांतले लोक हांगसर आपणालीं भुरगीं दिना आसले.

: आतां आमच्या भुरग्यांक बसून सोयरिको येतल्यो.

: धुवांखातीर जोतीं झरयतां तीं झरयतां पुतांखातीर झरोवचीं पडचीं नात.

: तुज्या पुताच्या लग्नाक मोटो गडगड करचो.

: लग्नाच्या निमतान येता त्या लोकांक आमचें तळें पळोंव दी. धादोस जावं दी.

: फकत पळोवन.

: म्हणजे ?

: उदकाक हात लावपाक मेळचो ना. (भगल्यांनी) तळें पळयात आनी सोयरिको जुळंयात.

(सगळे हांसतात. बापूय आनी पूत अस्वस्थ जातात. इतल्यान पयसुल्ल्यान अंकुश येता. लोक ताचे भोंवतणी एकठांय जातात. अंकुश तांकां बारीकसाणेन नियाळटा. लोकांचो आदलो जोश उणो पडटा)

अंकुश : हांव कितें दोमाऱ्यांचो खेळ घेवन आयलां ? कांय मुकादम जावन सप्तकाचो दिसवडो वाटपाक आयलां ? (एकलो उलोवपाचें धाडस करता.)

: तळें खणून जालें. तळयाक उदकूय लागलें. तळयाची राखण आमगेलो आबू बेसबरी करता.

अंकुश : मागीर –

: तळयाच्या उदकार शेळो मांडत आयला, निळें उदक पांचवें जातलें.

: त्या उदकाचो जाता तितले बेगीन वापर जावपात जाय.

अंकुश : उदकाचो वापर ? जातलो, अवश्य जातलो.

: पूण ताचेआदीं स्वामी येवपाक जाय न्हय ?

अंकुश : (मुद्दम) स्वामी ? कोण स्वामी ?

: स्वामी - स्वामी चैतन्यकुमार.

अंकुश : आं, आं. स्वामी चैतन्यकुमार. ताणे हांगा येवपाची घोशणा केल्या. म्हणटकच तो येतलोच. तुमकां तो बेगीन आयिल्लो जाय आसलो?

: बेगीन म्हणजे –

: स्वाम्याचें दर्शन बेगीन घडटा तितलें बरें न्हय ?

अंकुश : तुमी तुमचें येवजितात. स्वाम्याचें न्हय.

: ना कशें तर ? ताचेखातीर आमी येदें व्हडलें तळें खणलां.

अंकुर : (उबबून) तळें - तळें - तळें. एका तळ्यान जालें सगळें ? गांवच्या दरवटयार जेन्ना स्वामी उबो रावतलो तेन्ना ताची पूजा कशी करतले?

: पूजा ? फुलांनी करची पडली ना ?

अंकुश : पुजेखातीर फुलां सगांतल्यान पडचीं नात

: पुजेखातीर फुलां पैदासप मोटें कठीण काम न्हय, शेजारच्या गावांनी लोकांलीं फुलांचीं पोरसां आसात. आमचीं भुरगीं आमोरेर वचून धनयाचो दोळो चुकोवन कळे बुडडून हाडटलीं. नाजाल्यार फांत्यापारा वचून ताळयांसकट फुलां खुंटून हाडटलीं. फुलांची चींता तुमकां नाका. स्वामी खंयच्या दिसा, खंयच्या पारा येता इतलेंच सांग. स्वाम्याक फुलांनी भरपाचें काम आमच्या तारापोरांचें.

अंकुश : म्हणजे चोरयेच्या फुलांनी स्वाम्याची पुजा करतले ?

: चोरयेचीं म्हणजे - कोणाक कळनासताना हाडलेलीं.

अंकुश : सगळयांक फटयशात, स्वाम्याक कशे फटयतले ? फुलाचे पाकळेवयल्यान स्वामी सांगतलो, कोणाल्या पोरसांतलें फूल कोणे चोरून हाडलां तें.

: म्हणटकूच धांदळूच जाली म्हणपाची. आमच्या गावांत तशीं झाडां आसात. पूण फूलझाडां अशीं नात.

अंकुश : कारण तीं शिंपून काडचीं पडटात न्हय.

: (निलादरेपणान हांसत) बरोबर.

अंकुश : गावांत भितर सरनाफुडें स्वामी पयलीं सात पावलां जमनीवयल्यान चलतलो.

: आनी मागीर ?

अंकुश : मागीर स्वामी जमनीवयल्यान चार आंगळां वयर चलता काय हवेंतल्यान चलता तेंच कळपाचें ना. पयलीं सात पावलां म्हत्वाचीं. जंय स्वामी पावलां दवरतलो त्या पावलांक फातर-गुंडे कांयच तोपूंक जायनात. जर चुकून एखाद्रो शेंकरो स्वाम्याच्या तळव्याक लागलो

जाल्यार घडटलें तें सोसपाचें न्हय.

: कितें जातलें ?

अंकुश : रगताचे व्हाळ व्हांवतले. अजाप दिसतलें तुमकां, येदयाशा देहांतल्यान रगताचे अखंड व्हाळ व्हांवतात ते पळोवन. असलें अजाप पळोवपाक आशेवं नाकात.

: स्वामी पांय दवरता ती जमीन आमी निवळ करतात. जाय जाल्यार पेट मारून शेण सारोवन दवरतां.

अंकुश : तुमी निवळ केल्ले सुवातेर स्वामी पांय दवरतलो म्हणपाचो कितें भरवंसो ?

: मागीर ?

अंकुश : स्वामी जंय पावल दवरपाक सोदता थंय पुलांची रास ओतपाची. अशो राशी निदान सातकडेन.

: म्हणजे खुबूच फुलां लागतलीं.

अंकुश : आनी फुलां परक्या गांवचीं चलचीं नात. ज्या गावांत स्वामी, त्या गावचीं फुलां, त्या फुलांनी स्वाम्याची पुजा. (लोक चितेस्त जातात)

अंकुश : आनी स्वामी खातलो कितें ? घर तसो सोयरो, ही पद्धत स्वाम्याक लागता. स्वामी तशें घर, आसपाक जाय.

: स्वाम्याचें खाण - जेवण कितें ?

अंकुश : स्वामी फलाहारी. फकत फराळ करतलो. (लोकांक सू जाता.)

अंकुश : फराळाच्या वेळार ताटांत पांच तरांचीं फळां आसचीं पडटलीं. सकाळीं जे तरेचीं फळां खाल्लेलीं तसले तरेचीं फळां दनपारां ताटांत आसपाक फावना आनी दनपरां आसतात तसलीं रातचीं आसपाक उपकारनां.

: हें म्हणजे खुबूच जालें !

अंकुश : स्वामी फुक्यासवाय पडना. आनी जें फुलांचे बाबतींत तेंच फळांचे बाबतींत.

: म्हणजे ?

अंकुश : म्हणजे ज्या गावांत स्वामी रावतलो त्याच गावांतलीं

फळां खातलो दुसऱ्या गांवचीं चोरून वा विकतीं हाडलेलीं उश्टावचो ना.

: म्हणटकच हें सगळें आमच्या गावांत जावचें पडलें.

अंकुश : आनी तें कश्टांबगर जायना.

: तशें आमी कश्टांक भियेनात.

: येदें व्हडलें तळें खणलें ना तर.

: पूण हें सगळें करपाक खूब काळ वतलो. इतले मजगतीं स्वामी आयलो जाल्यार ?

अंकुश : कसो येतलो ? फुलांचो परमळ आनी फळांचो घमघम ह्या गावांतल्यान भायर सरतलो तेन्नाच स्वाम्याच्या नाकांत रीगतलो म्हय. आनी घोशणा करूनय स्वामी आजूनमेरेन येवंक ना ताचेंय कारण हेंच आसूंक शकता. ताचे पुजेची आनी फराळाची तयारी आजून जावंक ना.

: तशें जाल्यार आनीक कळांव नाका.

अंकुश : तळयाच्या उदकाचेर आतां शेळो मांडपाक फावना. (इतल्यान थंय जाणटेलो आबू येता. हातांत दांडो आसा. आबू आपले भितर चिंतेस्त कसो आसा.)

: आबो, तळयाच्या उदकार आमी आतां झाडां रोवन काडपाचीं. फुलांचीं आनी फळांचीं झाडां.

: तरातरांचीं बियां आनी रोपां आमी पैदासून हाडाटात. (आबू हयकार दिता.)

अंकुश : एक गजाल मतींत धरात. तळयाचें उदक पोरसाचे शिपणे खातीरूच वापरपाचें. तुमचे तानेखातीर तुमी उदकाचो एक थेंब जरी जिबेर घेतलो जाल्यार स्वाम्याचे अवकृपेक लागून तुमकां उतळताप भोगचे पडटले.

: तळें राखतल्या जाणटेल्या आबोची देख आमकां पुरो.

अंकुश : तशें जाल्यार हाडात कुदळी, खणात माती,
करात कुणगे आनी माजे,
रोपात झाडां, दियात शिपणे, उदक तशें सारें आनी
लायात तो सूर,

वसांसकिनी तुमचेकडसून शेणिल्लो आनी आतांच तो तुमकां गावला.
मन आनी श्रम हांचो मेळ बसोवपी सूर.
कश्टांक वेग दिवपी सूर.
म्हजो आनी तुजो मेळून एक जाल्लो सूर.
(तळें खणटाना जो सूर आनी ताल लागिल्लो तोच ताल घुमूंक लागता आनी त्या तालाचेर गावप सुरू जाता. खोऱ्या कुदळिनी खणप जाता. झाडांच्या रोपांचें रोवप जाता. शिंपप जाता. वावर चालू आसतानो जाणटेलो आबू सगळयांचेर नदर दवरता, चड करून काम करताना उदक कोण पिवचोना हाचेर बारीक लक्ष दिता. काम सुरू जालें हाची खात्री पट्टकच अंकुश थंयसावन कडसरता. काम खूब दीस चलता हें काळोख-उजवाडाच्या प्रतिकांतल्यान स्पश्ट जाता. तळयाचे देगेर आतां पोरसूं वसलां.)

(एके सुवातेर कांय बायलां बसल्यांत. तीं एकामेकाच्यो उवो मारतात.)

बायलां : शी बाये, खरड पडल्या माथ्याक
: हिका आनी जाल्या जटो.
: हिच्या केसांक जाल्यात लिकांच्यो बेनुल्ली.
: हिच्या माथ्यांत उवांचे हिंड.
: तळपटे सडे उदकाक आशेतात तशी जाल्या अवतिकाय आमच्या माथ्यांची.
: आतां पावसाची वाट पळोवपाची.
: सगळे वाट पळयतात स्वाम्याची.
: तो कितें सुर्या थरिल्ल्या वेळार उदेवपाक ?
: येता तेन्ना खरो.
: तळयाच्या उदकार पोरसूं मात बरें रसरसून वयर सल्लें.
: तळयाच्या उदकार काय घामाचे धारेर ?

: आमी फकत घामूच वारेवपाचो !

: आतां तुमच्या घाम्राक येतलो सुरबूस वास.

: शी बाये.

: शी कितें ? पोरसांत आतां फुलां फुलतलीं फुलां.

: आवय्‌स ! ताळ्याक तानसोर लागता तसो खोपो तट्‌तटून आयलो.

: फुलां माळपा असलें दुसरें सुख ना.

: घोव जर म्हाका सद्दां एक फुलांची फांती हाडीत जाल्यार सगळो मार हांव सोन्यानी सोंसपी.

(सगळीं हांसतात.)

: भंगले असले घोव.

: ह्या घोवांचेर पातयेल्यार फाले जाले फालें.

: आमची लक्तुबाय आमीच करपाचो.

: (ल्हवूच) पोरसांतल्या एका झाडाक कळे आयल्यात कळे !

: खरेंच ?

(सगळींच लागीं येवन फुतफुततात.)

(एके सुवातेर कांय दादले गजाली मारतात.)

: असले तरेचीं बियां आनी रोपां आमचे मातयेंत धरल्यांत म्हणपाचें पळोवन अजाप दिसला.

: झाडां कशीं गिरेस्ताल्या सुण्यासारकीं गुलगुलीत मातल्यांत!

: म्हाका दिसता, धा गांवचीं झाडां आमच्या एकाच पोरसांत वयर सरतलीं.

: धा गांवचीं बियां आनी रोपां पुंजावन हाडल्यांत म्हणटकूच तशें जातलेंच.

: आमचे मातयेक कस आसा खरो.

: मातयेचो कस आनी हारोहार उदक. मुळांक आनीक कितें जाय ?

: ह्या येदचा व्हडल्या तळ्याचेर एक पोरसूं कित्याक

अख्खें एक कुळागर उबें करूं येता.

: कुठागरूच न्हय एक शेत लेगीत.

: कुळागर आनी शेत ? आमच्या गावांत ?

: हय, शक्य आसा..

समजा, आमी कुळागर वसयलें, शेतं पिकयलें जाल्यार खातलो कोण ?

: खातलो कोण म्हणजे ? आमच्या तोंडाक कितें गुड्डे माल्ल्यात तर ? करता तो खातलो.

: आतां खाता तशे ?

: म्हणजे ?

: तुमी तळें माल्लां. उदक खाता ? ना. फाल्यां पोरसांत फुलां फुलतलीं. परवां फळां धरतलीं. आसा अधिकार तुमकां ?

: (ल्हवूच) पोरसांतल्या एका झाडाक फळ जालां. जून जालां जून.

: कसलें ?

: कोणा दयडिऱ्याक वळखुपाक येता ? नदर पडनाफुडें तोंडाक लाळ काडटा.

: पाडपडिल्ल्यांनो, नदर घालता तोमिरेन बरें आसा. हात बी घालशात. सुण्याचे अवतिकायेन मरतले.

(एकेवटेन बोवाळ जाता. कांय दादले एके बायलेक मदीं घालून तिका धांवडायत हाडटात. ती काचाबूल जाल्या. तिणे माथ्यांत फूल माळ्ळां. ती लोकांच्या कंवडाळचांतल्यान सुटून वचपाक पळयता पूण लोक तिका कशेच सोडिनात. इतल्यान थंय अंकुश पावता.)

: (अंकुशाक) हे - हे बायलमनशेन पोरसांतलें फूल तोडून माळ्ळें. पयलेंच फूल.

: सगळचान पयलीं जाणटेल्या आबोन पळयलें.

(आबो मान खाला घालता.)

एकलो : (मुखार येवन) म्हजी बायल ती. तिका फुलांचो खूब

सोस. तशें पळोवंक गेल्यार फुलांचीं चडानचड रोपां हावेंच हाडल्यांत आनी पोरसूं शिपपाक लेगीत तीच सगळ्यान मुखार आसताली.

अंकुश : झाडांचीं रोपां कोणे हाडल्यांत, कोणे रोयल्यांत, कोणे शिपल्यांत हो प्रश्न न्हय. झाडाचेर फुलिल्लें फूल तोडपाचो अधिकार कोणाक आसा ? हो प्रश्न.

: ना, आमकां तसो अधिकार ना.

: तो सगळी स्वाम्याची प्रेरणा.

: आमचे फकत कश्ट.

: हिचें कितें करपाचें ?

अंकुश : तिका ख्यास्त फर्मावपाक हांव तुमचो धनी न्हय वा ते बायलमनशेचो दुस्मानून न्हय.

: तरीपूण स्वाम्याखातीर -

: कोणे एकल्यान अपराध केलो आनी आमी मोन्यानी ताका मान्यताय दिली अशें जावचें न्हय देखून.

: कारण आमकां स्वाम्याची कृपा जाय. अवकृपा नाका.

: (अंकुशाक) सांग, कसली ख्यास्त दिवपाची हे बायलमनशेक ?

अंकुश : जें पयलें फूल स्वाम्याच्या पांयापोंदा पडपाचें तें फूल हे बायलेन आपल्या माथ्यांत खोयलें. तें फूल ज्या केंसांनी झेल्लें ते केंसूच कातरून वडोवपाचे..

(बायलमनीस किळांच मारता. तिगेलो घोव तिका वांटावपाक धांवता पूण लोक ताका कुशीक सारतात. ते बायलमनशे फाटल्यान धांवत वतात. जाणटेलो आबू आनी अंकुश दोगूच उरतात. आबो सकयल घाल्ली मान वयर करता आनी अंकुशाक पळयता. अंकुश नदर कडेक काडटा. कांय वेळ असोच वता. दुसरे एके बटेन लोकांचो बोवाळ आयकूंक येता. चार-पांच जाण एकल्याक बळजबऱ्यां ओडून हाडटात. तो मनीस सुटपाचो यत्न करता.)

: हाणे - हाणे पोरसांतलें अख्ख्यानें अख्खें फळ खाल्लें.

: पयलें वयलें फळ सामकें जून जाल्लें. टटास !

अंकुश : कसलें फळ ?

: आमकां खबर ना. खाल्लां ताकाच खबर आसतलें.

अंकुश : (दुबावीत चोराक) कसलें फळ ?

दुबावीत चोर : म्हाका खबर ना.

अंकुश : खबर नासतना खाल्लें ?

दु. चोर : हावें फळूच खावना. फळाक हातपासून लावना. जाय तसलो सोपूत. आवयचो सोपूत, बापायचो सोपूत.

: हाच्या सोपूताचेर पातयेवपाचें ना. हाणें बापायकूय खाला आनी आवयकूय खाल्या आनी आतां फळूय खाल्लें.

दु. चोर : ना, हावें फळ खावना.

अंकुश : कित्याक खावना ? झाडाचेर फळां लागपाक तुवें कश्ट करूंक नासले ?

दु. चोर : (हात दाखयत) हाताक कशीं खीणां पडल्यांत तीं पळय. हांव थोडो वावरूंना !

अंकुश : देखून तुवें फळ खाल्लें ?

दु. चोर : हावें फळ खावना. तुमी म्हजोच कित्याक दुबाव घेतात ? फळ ना जाल्यार तें हावेंच खाल्लां कित्यावयल्यान ? तुमच्या मदल्या कोणेय तें खाल्लां आसूं येता.
(दर एकलो प्रमाण जावन सांगता)

: हावें खावना.

अंकुश : तुमच्यामदल्या कोणेन तें फळ खाल्लां तें सूर्यप्रकाशाइतलें स्पश्ट आसा. वगीच एकामेकाचेर घालपाची कसलीच गरज ना.

: सांग कोणे खाल्लां ?

अंकुश : जाणे फळ खाल्लां ताच्या माथ्यार आसा धवें कोंबयेचें काळें पांख.

दु. चोर : धवे कोंबयेचें काळें पांख ? शक्यूच ना.
(आपणाल्या माथ्यांत हात घालता. तेसरशीं सगळे ताका

'चोर' 'चोर' म्हण चाळयतात. तो खजील जाता.)

: (अंकुशाक) सांग, हाका कसली ख्यास्त दिवपाची ?

: फळ खावन पोट पळय कशें तट्टटा.

: चार दीस उपाशीं रावपाची ख्यास्त दिवपाक जाय.

: (अंकुशाच्या कानात) उपाशीं रावपाची ख्यास्त दिवप बरोबर न्हय. ह्या गावांतल्या लोकांक आठ/आठ दीस अन्नावीण उपाशीं रावपाची संवंय आसा.

: हाचो अपराध आमच्या माथ्यार नाका.

: स्वाम्याक बरें दिसता तशेंच करपाचें.

अंकुश : फळ कशें आशिल्लें ? म्हणजे आकारान कशें ?

: बारीक

: ना, मोटें

: लांबोडयेशें.

: ना, काणी कशें.

(कोणूच सारकें सांगूक नकळो जाता. अंकुश चोराकूच विचारता.)

अंकुश : फळ कशें आशिल्लें

दु. चोर : (हातान दाखयत) बांटकुळें.

अंकुश : फळ आशिल्लें बांटकुळें. पेल्ल कशें. जमनीर पटल्यार गडटडून वता तसलें. हांगासल्ल्यान धुकल्ल्यार थय पावपाचें. थंयसल्ल्यान खोंट माल्ल्यार गडगडत हांगा येवपाचें (लोकांक) हाचो पेल्ल करात.

(सगळेजाण चोराक मदीं घालतात आनी ताका एकामेकांचेर धुकलून वडयतात. कोण हातांनी जाल्यार कोण खोंटानी. अशें करीत करीत लोक कुशीक वतात. जाणटेलो आबू आनी अंकुश दोगूच उरतात. व्हदळचेवरी आबू अंकुशाक नियाळटा. अंकुश ताचे नदरेक नदर दिना आनी थंयसावन झप् करून कडसरता.)

(माची उजळटा त्या उजवाडांत दिसता – उदकाखातीर

ख्यास्त जाल्लो भुरगो, फुलांखातीर ख्यास्त जाल्लो बायल आनी तिचो घोव आनी फळाखातीर ख्यास्त जाल्लो मनीस जड पावलांनी चलतात. बायलेन तकलेर पदर घेतला. तांच्या खाक्यांत, माथ्यार लागल्यो साटल्यो-पोटल्यो आसात. तांचे फाटीफुडें कांय लोक जमतात.)

लोक : तुमी हें आडायलां कितें ?

: अशो साटल्यो-पोटल्यो माथ्यार मारून तुमी खंय वतात?

फळाचो चोर : आमी हो गांव सोडून चल्लों.

(सगळे लोक अजापतात.)

घोव : आमचेखातीर हांगा कितें आसा ? तान लागल्यार उदक पियपाक मेळना. भूक लागल्यार फळ खावपाक मेळना उमेदीन एक फूल खुटून माथ्यांत घालपाक मेळना.

बायल : ख्यास्ती जातात. केन्ना कोणे पळोवंक नाशिल्ल्यो, केन्ना कोणे आयकूंक नाशिल्ल्यो ख्यास्तो. भुरगो म्हण पळयना, बायल म्हण पळयना. आमचेच गांवभाव आमच्याच आंगार हात घालतात. आमकां कितें अब्रू-मान आसा काय ना ?

(लोकांक समजावणी मेळटा.)

: हें, हें सगळें त्या अंकुशाखातीर जाता.

: गावांतल्यान धांवडावपाचो जाल्यार ताकाच धांवडावपाक जाय.

: हांव म्हणटां, आमचो शेगो आमी ह्या अंकुशाच्या हातांत दिवचीच कित्याक ?

: म्हाकाय तशेंच दिसता, म्हणजे आमी सामकेच मोव रावतात आनी हो अकुश आमकां खण खण खणटा. तोंडाक येता तें जायकाय उलयता. मनात येता तसो वागता आनी आमी मात ताचे सगळे थेर मोन्यानी सोसतात. असो कोण लागून गेला तो आमचो ?

(अकस्मात अंकुश प्रगट जाता.)

अंकुश : तुमचो बापूय. तुजो, तुजो, तुजो आनी तुमचो सगळयांचो बापूय. म्हाका गावांतल्यान धांवडायतात ? आरे, तुमच्या गावांत रावपाक हारेला हांव ? म्होंव काय भांगर लागलां तुमच्या गावांक ? तुमी आग्रो केलो म्हण रावलों. नाजाल्यार त्याच खिणाक हुंवाळून वतलो आसलों ज्या खिणाक तुमी म्हजी पोचुंडी उबारिल्ली.

(लोक शांत जातात. एक एकलो उलोवपाचो धीर करता.)

: हे लोक गांव सोडून चल्ले.

(अंकुश तांकां हात जोडून निरोपाचो नमस्कार करता.)

: हे आमचे गांवभाव.

अंकुश : (मुदारीत) आनी एक गांवभयण.

: बरोबर. ताचें म्हणणे ह्या गावांत आतां कसलो अन्न-मान उरूंक ना.

अंकुश : अन्न-मान ? ह्या गांवच्या लोकांक केन्ना कसलो मान-सन्मान आसलो ? तो जाणटेलो आबू आजून मरूंक ना. विचारा ताका. ताणेंच सांगिल्लें म्हाका - ह्या गावांतल्या लोकांक तसो मान - सन्मान बी कांयएक ना.

: तशें तेन्ना तें खरेंय आसलें.

: आतां कसलो बदल घडला ? तशें जाल्यार तुमी मान सन्मान जगूं येता. म्हजी कसलीच हरकत ना. आनी हरकत घेवपाक कोण? हांव तुमचो गांवभाव न्हय, हांव तुमचो स्वामी न्हय, हांव तुमचो कोणूच न्हय. हांव एक वाटेचो वाटसुरो. एक खबर कानार पडली. ती तुमकां लागताली म्हण तुमच्या कानार घातली. हरशीं कितें घडपाचें आसा तें घडटलेंच आसलें. हांव फकत निमित्ताक कारण जालां इतलेंच.

: तशे तुजे आमरचे खूब उपकार जाले

अंकुश : हावें तुमचेर उपकारूय करूंना आनी हावें तुमचेर अधिकारूय गाजोवं ना. हांव म्हज्या सभावाप्रमाण

वागलां. म्हजेखातीर हे लोक गांव सोडून वतात अशें जर तुमकां दिसता जायत जाल्यार ह्या खिणाक हांव हांगसून वचपाक तयार आसा.

: नाका, नाका आमीच तांची समजिकाय काडटां.

(इतल्यान आबू येता.)

: जाणटेल्या आबो, आतां तूंच हांकां समजाय.

(आबू नातवाक वेंगेंत काडटा आनी हेरांक कुरवांनीच गांव सोडून वचूं नाका म्हण शिटकायता. ते फाटीं परततात.)

एकलो : (कांयशे निबरसाणेन) पूण अंकुश, एक गजाल तुवें आमकां सांगचीच पडटली.

अंकुश : तुज्या आवाजांत मातशी निबरसाण, ते निबरसाणेत एक फर्मान, त्या फर्मानात एक अधिकार आसा अशें दिसना तुका ? म्हाका संवय ना असल्या गजालिंची.

एकलो : (नमळायेन) तशें अधिकारान न्हय पूण नमळायेन आमी तुमकां विचारपाक सोदी –

अंकुश : स्वामी केन्ना येतलो ?

एकलो : बरोबर

अंकुश : आतां स्वामी चैतन्यकुमार हांगासर ना येवपाक कसलेंच कारण उरूं ना.

: म्हणजे ?

अंकुश : स्वामी चैतन्यकुमाराच्या येवकाराची सगळी तयारी जाल्या. घोंटभर उदकाखातीर येदें व्हडलें तळें आठ-काठ भल्लां. स्वाम्यांच्या पांयातळा दाळपाखातीर तरातरांचीं रंगरंगयाळीं फुलां पोरसूंभर परमळ्ळयांत. सुरबूस गोमटीं रसाळ फळां खांदया खांदयानी आनी तेंगशा तेंगशांनी जडभार जाल्यांत. स्वाम्यांक हाची कल्पना ना अशें म्हणप समा न्हय. स्वामी अंतर्यामी. ताकां तें होलमलां आसतलें. देखून खंयच्याय खिणाक स्वामी हांगासर प्रगट जावं येता.

(लोक भुल्लुसल्यात.)
तुमचेकडसून जावपाची एकूच गजाल उल्ल्या अशें म्हाका दिसता.

: खंयची गजाल ?

अंकुश : मठ. स्वामी चैतन्यकुमारान तुमच्या गावांत मठ बांदपाचो संकल्प सोडला.

: मठ आमी बांदप ?

अंकुश : ना, मठ स्वामीच बांदतलो. तुमी फकत तयारी करप.

: म्हणजे ?

अंकुश : मठाखातीर फातर एकठांय करप. दर एकल्यान निदान एक तरी फांतर हाडप. खंयच्यानूय पैदासून हाडप.
जांव दोंगरावयल्यान,
जांव खळींतल्यान जांव घळींतल्यान, जांव मळावयल्यान,
जांव सड्यावयल्यान.
एक - एक फातर.
आज्या आनी पणज्याचो एक - एक फातर,
बापायचो आनी आवयचो एक एक फातर,
भाव आनी भयणिचो एक एक फातर,
मांय आनी मांवाचो एक एक फातर,
जावे आनी नणडेचो एक एक फातर,
भुरग्या आनी बाळाचो एक एक फातर.
(आदलोच सूर आनी ताल घुमूक लागता. त्याच सुरा तालाचेर एक एकलो मनीस एक एक फातर हाडून एके राशीर घालता. लोकांक पुरो जालां. पुरो जालां म्हणचेपरस इत्सा नासताना बळजबऱ्यां म्हणटा तशें लोक वावुरतात. अंकुश वावर सुरू जातकच कडसरता. फातरांची रास जाता. वावर चालू आसतना अकस्मात अंकुश फातरांचे राशीर उबो जाता आनी लोकांक लेखून उलयता.)

अंकुश : स्वामी चैतन्यकुमाराच्या मठाखातीर वावुरपी निश्ठावान

लोकांनो, आयकात. तुमचो बावर फळाक आयला. स्वामी चैतन्यकुमार आतां खंयचेय घडकेक तुमचेमुखार प्रगट जावंक शकता. फातर पुंजावपाचो बावर आतां बंद करात आनी स्वाम्याच्या येवकाराखातीर तयार रावात.

(लोकांमदीं खोस पातळटा. लोक हातपांय फाफडून कामांतल्यान मेकळे जातात.)

सणा परबेक आनी उत्सवाक न्हेसतात तसलीं न्हेसणां न्हेसात. बायलांनी आरती घेवन मुखार रावचें. स्वाम्याचो पांय तुमच्या गावांक लागनाफुडें हांव हांगासर एक खीणभर लेगीत रावपाक ना. हावें तशी शिटकावणी तुमकां आदींच दिल्या आनी तुमीय मनांत तशेंच येवजिलां आसतलें.

हांव स्वाम्याचो शिश्य न्हय आनी भक्तुय न्हय. तरी आसतना स्वाम्याविशीं म्हाका जें कितें खबर आशिल्लें तें हावें तुमकां मेकळेपणान सांगलां. स्वाम्याच्या घोटभर उदकाविशीं हावें तुमकां सांगलां, स्वाम्याचे पुजेविशीं, फराळाविशीं हावें जें जें सांगलां तें तें स्रामकें खरें आनी थंय हावें कसलींच फटींगपणा करूंना. स्वाम्याविशी एकूच गजाल सांगपाची उरिल्ली. तशें पळोवपाक गेल्यार ती आदींय सांगूं येताली. ती गजाल म्हळ्यार स्वामी चैतन्यकुमाराक एके रातीक सेवेखातीर एक बायल लागता. अर्थात तळ्याखातीर आनी फुलां-फळांखातीर तुमी जितले कश्ट घेतले तितले कश्ट तुमका हे गजालीखातीर लागचे नात. कारण तुमच्या घरांत तुमची बायल आसतली, भयण आसतली नाजाल्यार धूव तरी आसतलीच.

(लोक बुचकळ्यांत पडल्यात. ते अंकुशाक हातांच्यो कुरवो करून सकयल आपयतात. अंकुश सकयल तांचे म्हऱ्यांत येता.)

: हें प्रकरण कितें ?

अंकुश : कसलें प्रकरण ?

: एके रातीक एक बायल म्हणजे कितें ?

अंकुश : सेवेखातीर.

: कसली सेवा ?

अंकुश : कसली सेवा म्हणजे ! शरीरसेवा. दादलो आनी बायल रातचीं एकीकडेन आसतकच कितें करतात ? उपभोग !

: आमच्या बायलांनी हें काम करप ?

अंकुश : मागीर आनीक कोण दादले करतले ? हो स्वामी तसलो न्हय. हाका बायलांच लागतात.

: आमचीं बायलां असलें करचीं नात.

अंकुश : सगळ्यांचो निवाळो दिवं नाका. तुमी धपकायल्यार घडये फाटीं सरत. पूण बायलांक असले स्वामी मनापासून आवडटात. संवसारांतल्या सगळ्या स्वाम्यांचो इतिहास काडून पळयात. कांय आडवाद सोडले जाल्यार बाकिचे एकान एक स्वामी बायलांफाटल्यान आसता आनी बायलां ताचेफाटल्यान.

: आमकां बाकिच्या स्वाम्यांचें नाका, आमच्या स्वाम्याविशीं सांग.

अंकुश : तुमच्याच स्वाम्याविशीं सांगतां. तो स्वामी जालो तरी मनीस प्राण्याचीं सगळीं इंद्रियां ताका आसात आनी तीं बेसबरीं चलतात. मनशाक भुको फकत दोनूच आसतात. एक वयर आनी दुसरी सकयल.

: स्वामी ब्रम्हचारी आसतात म्हणटात तें कितें तर ?

अंकुश : ब्रम्हचारी म्हणटात ते सबंद मनीसकुळयेच्या इतिहासांत फकत हाताच्या बोटार मेजपाइतल्याच मनशांक पेल्लां. स्वामी चैतन्यकुमार त्या ब्रम्हचाऱ्यांमदलो एक न्हय इतलें म्हाका खबर आसा.

: तशें जाल्यार हें तुवें आमकां पयलींच कित्याक सांगलें ना ?

अंकुश : तुमी म्हाका विचाल्ल्यार हांव तुमकां सांगतलो आसलों. म्हाका दिसलें, तुमकां ही गजाल खबर आसा आनी ते गजालीक तुमची मान्यतायूय आसा.

: असले गजालीक आमची मान्यताय? शी ऽऽ

: आमकां कितें अब्रू - मान आसा काय ना?

अंकुश : अब्रू - मान तुमकां?

: हय हय आमकां. पयलीं तुका सांगिल्लें खरें पूण सारकें न्हय तें. आमकांय आमचो मान सन्मान आसा.

अंकुश : तुमचो मानसन्मान गेलो खळांत. स्वामी चैतन्यकुमारान तुमच्या गावांत येवपाची घोशणा केली त्याच खिणाक तुमी ताचे भक्त न्हय दास जाले दास. ताचेखातीर तुमी तळें खणलें, ताचेखातीर तुमी फुलां फुलयलीं, फळां पिकयलीं. ताच्या नांवान तयार जाल्ल्या उदकाचो घोट पोटांत घेवपाचें तुमकां धाडस जालें ना. ताच्या नांवान फुल्लेलें फूल खुंटपाक तुमकां बळ जालें ना. ताच्या नांवान पिकलेल्या फळाक घांस मारपाची तुमकां शक्त आयली ना. देखूनच स्वाम्याचे हे इत्सेभायर तुमी वचूंकच शकनात. तुमकां तितलें बळूच ना. स्वामी गावांत येतलो. ह्या तळ्याचो, फुलां - फळांचो आनी तुमच्या बायलांचो मुक्तपणान उपभोग घेतलो. आनी ते बदलीं तुमकां लाबतली सुखसमृद्धताय! रोगपिडांचें निर्दालन! तुमच्यासारक्या सांजेक नाशिल्ल्या कपल-फुटक्यांक आनीक दुसरें कितें जाय!

(सगळे आपलेमदीं घुस्मटटात. पूण कोण एक परती जाप करपाक शकना. एक एकलो फातरांचे राशीरूच थपकल मारून बसता. कोण तोंडार हात दवरून, कोण कपलार, कोण दोळ्यांर, जाल्यार कोण कानार.)

अंकुश : मानसन्मानाचे गरजेभायले नखरे करूं नाकात. स्वामी खंयच्याय खिणाक प्रगट जावं येता. ताचे कृपेक पात्र जायात. ताचे अवकृपेचे बळी जावं नाकात.

(अंकुश वता. सगळे आसा तेच थीर अवस्थेंत रावतात. भितरसून आदलीच धून मंद आवाजांत घुमपाक लागता. फातरावयल्या लोकांचेर उजवाड एकवटता आनी मागीर काळोख जाता.)

(पयसुल्ल्यान एक पंगड घोशणा दीत येता ताचो आवाज आयकूंक येता. 'स्वामी चैतन्यकुमार महाराज की जय' अशे तरेच्यो त्यो घोशणा. ल्हवू ल्हवू माची उजळटा. लोक तेच अवस्थेंत आसात. पयसुल्ल्यान अंकुश घबा घबा करून धांवत येता.)

अंकुश : स्वामी चैतन्यकुमार महाराज की जय.

(तेसरशी फाट करून बशिल्ले सगळे लोक झप् करून वळटात. दर एकल्याच्या हातांत बारीक मोटो एक एक फातर आसा. अंकुश तांकां पळयतूच उरता. ताच्या तोंडांतल्यो घोशणा तोंडांतूच अडटात. सगळ्यांच्या तोंडार राग रसरसता. तांचेमदलो एकलो उलोवपाक लागता.

: अंकुश, तुजें काम जालें. तूं आतां कडेक सर. आमचेखातीर येता त्या स्वाम्याक आमी आमचेभशेन येवकार दितले.

(अंकुश सगळ्यांचेर बारीक नदर भोंवडायता आनी थंयच्यान वेगान वचपाक सोदता. इतल्यान हातांतलो फातर कडेक दवरून जाणटेलो आबू धांवत येता आनी अंकुशाच्या पांयार घालून घेता.)

आबू : धनयां, धनयां हांव तुका वळखलों. बेसबरो वळखलों.

(अंकुश ताका कुशीक सारता आनी त्याच वेगान वता. जय सावन घोशणा येतात ताचे वेगळे वाटेन वता.)

आबू : धनयां, धनयां आमकां अंतर दिवं नाका. आमकां सोडून वचूं नाका.

(अंकुशाच्या फाटोफाट वता. लोक ह्या प्रकरणान थोडेसे बुचकळ्यांत पडल्यात. इतल्यान पयसुल्ल्यान येवपी घोशणांचो आवाज लागीं लागीं येत रावता. लोक शादूर

जातात फातर सांबाळटात. चार/पांच जाणांचो एक पंगड येता. अंकुशावरी तांच्याय आंगांत तसलीच चपळताय आसा. सगळयांचो भेस एकेच तरेचो चड करून भगवो. मुखावुयल्याच्या हातांत एक कपडयाची घुडी आसा. घुडयेर चैतन्याचे प्रतीक म्हूण चक्र वा सुर्याचे चित्र आसा. हो पंगड म्हळचार स्वामी चैतन्यकुमाराचे शिश्यगण. तांगेलें उलोवप प्रभावी आनी परीणामकारक आसा.)

पयलो : स्वामी चैतन्यकुमार महाराज की –

बाकिचे : जय !

(शिश्यगण सगळयांक हांसत्या मुखान नमस्कार करतात.)

पयलो : नमस्कार इश्टांनो, तुमकां हे अवस्थेंत पळवन आमकां संतोस भोगलो. स्वामी चैतन्यकुमाराच्या आनीक एका प्रयोगाक फाटल्या सारकेच यश लाबलें !

: (लोकांमदलो एकलो) स्वामी चैतन्यकुमार खंय ? आमी ताच्या येवकाराक रावल्यात.

दुसरो शिश्य : स्वामी चैतन्यकुमार येवकाराची संद कोणाक दिना. फकत निरोपाची दिता. आमी स्वामीचे शीश्य. आमी ताका व्हरपाक आयल्यात.

लोक : व्हरपाक आयल्यात ? म्हणजे खंय आसा तर तो ?

तिसरो शिश्य : तुमचेमदीं. आयज आसलो, काल आसलो, पयर आनी ताचेआदीं किनलेशेच दीस.

: स्वामी चैतन्यकुमार आनी आमचेमदीं ?

पयलो शिश्य : तुमच्या हातांतलें प्रतिकाराचें प्रतिकूच सांगता, स्वामी चैतन्यकुमार तुमचेमदीं आसलो. नाजाल्यार तुमचेकडसून कोणे खणून घेतलें हें तळें ? कोणे वसोवन काडलें हें पोरसूं ? तुमचेकडेन आशिल्लीं जायत तुमचीं भुजां पूण तातूंत फूक सारून रगत घोळयलें ताणें. तुमचीं जडां जाल्लीं शरीरां ताणें उबीं केलीं. ताणें तुमकां चेतना दिली. चेतनेचो अविष्कार निर्मणी. निर्मणेचेर

निर्मितल्याचो अधिकार आसा. चेतनाच तो अधिकार जागयता. अधिकाराचेर घुरी येता तेन्ना चेतनाच मनशाक प्रतिकार करपाक पेटयता. तुमी पेटल्यात. हें सगळें कर्तुब स्वामी चैतन्यकुम राचें. स्वामी खंय आसा ?

(लोक गोंदळयांत. इतल्यान जाणटेलो आबू गेल्लो तेवटेतल्यान परत धांवत येता.)

आबू : हांव, हांव ताका वळखलो. पयलेच खेप तो गावांत आयलो तेन्ना भोगसुणी मागपाक हावें ताचे पांय धल्ले तेन्ना ताणे म्हाका खोटेनूच धुकल्लो आनी म्हळें -'मनीस जावन मनशाचे पांय धरता ?' संताचे पदवेक पाविल्लोच अशें करपाक शकता. तेन्नासावन ताचे दर एके करणेचेर हांवें बारीक नदर दवल्ली. आनी आयज कळ्ळें - तो दुसरो तिसरो कोणूच न्हय, साक्षात स्वामी चैतन्यकुमार.

दु. शिश्य : स्वाम्यांन हांसर आपणालें नांव कितें म्हण सांगलें ?

: अंकुश. फालतू नांव अशें ताणेंच म्हळें.

दु. शिश्य : अंकुश जावनच तो तुमकां खिणां - खिणांक तोंपला आसतलो.

आबू : आमकां ताणे जाग्यार हाडले.

ति. शिश्य : आतां स्वामी खंय आसात ?

आबू : हावें कितलो आडावपाचो यत्न केलो पूण वाऱ्यांत आनी ताच्यांत कसलोच फरक नसलो. स्वामी आमच्या गांवची शीम हुपून दुसऱ्या गावांत गेलो.

प. शिश्य : आतां त्या गावांत असलोच प्रयोग सुरू जातलो. कितलो तेंप वचत म्हण देवाक खबर ! आमची पावट फुकट गेली. आमकां आयिल्ल्या पावलान परतूचें पडलें. स्वाम्यांक खूब जपचो पडटा. सबंद संवसाराचे फाटकुळेचेर आसून आसून असले कितलेशे स्वामी आसात म्हण दुबाव पडटा. खूब थोडे आसतले.

आबू : स्वामी आमकां सोडून गेलो. पूण ताणे आमकां जगपाक उमेद दिली. जगपाचेर हक सांगपाइतली उमेद दिली.

आमी ह्या फातरांनी ताचो मठ बांदतले. स्वामी चैतन्यकुमाराचो मठ, तागेल्या पवित्र उगडासाखातीर.

प. शिश्य : नाका. असलीं पिशेपणा करूं नाकात. तशें केल्यार स्वामी चैतन्यकुमाराच्यो वावर तुमी मातयेभरवण केलो अशेंच जातलें. जीव नाशिल्ल्या फातरांच्यो वणटी उबारून चैतन्याक बंदी करूं नाकात. चैतन्य आसता अशें व्हांवत्या वाऱ्यांत, खळखळटचा उदकांत, सळसळटचा रगतांत. खरें म्हळयार चैतन्याक मठ ना. येता आमी.

(घोशणा दीत आयिल्ले ते वाटेन परततात. गावांतले सगळे लोक नमळायेन हात जोडून उबे रावतात आनी तोंडान 'जय' म्हणटात.)



.... चेतनेचो आविश्कार
निर्मणी. निर्मणेचेर निर्मितल्याचो
अधिकार आसा. चेतनाच तो अधिकार
मनांत जागयता. अधिकाराचेर घुरी येता
तेन्ना चेतनाच मनशाक प्रतिकार करपाक पेटयता
.... जीव नाशिल्ल्या फातरांच्यो वणटी
उबारप म्हणजे चैतन्याक बंदी करप.
.... चैतन्य आसता व्हांवत्या वाऱ्यांत,
खळखळट्या उदकांत, सळसळट्या
रगतांत. खरें
म्हळ्यार

चैतन्याक मठ ना

अपुरबाय
प्रकाशन

मुखपृष्ठ छापणावळ
राजेश तळावलीकार, फोंडें